


# आम्गेल्यौं कोंकणी काणयो

मा. जैसन पींत, उद्यावर

आशावादी प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक

**आशावादी प्रकाशन,**

*कोंकणी साहित्य प्रकाशनांत २५व्या वर्साकि*

*मेटां काडच्या संधभ्रि सर्व बरें माग्तां*



# डो. रोनाल्ड कुलासो,

# जीन कुलासो

आनीं कुटाम

# आमगेल्यो कोंकणी काणयो

**(कथा)**

- मा.जेसन पिंटो

## आशावादी प्रकाशनाचें डिजिटल पुस्तक

**Amgeleo Konkani Kann'yo - Konkani short stories written & transliterated by Fr. Jason Pinto, edited by Valley Quadros, digitally published by Ashawadi Prakashan.**

**(C) ASHAWADI PRAKASHAN**

| | |
|---|---|
| **First Edition** | **: 2024** |
| **Cover** | **: Enigma Creations** |
| **Layout** | **: Enigma Creations, Goa** |
| **Pages** | **: 58 + 4** |
| **Price** | **: Rs.125** |

For communication

**Email**: ashawadi@gmail. Com

WhatsApp: **7021967880**


# मांडावळ


- प्रस्तावन - आमगेलो कोंकणी शर्कस (वल्ली क्वाड्रस) .................................... ७
- सुर्विलीं उत्रां - आमगेल्यो कोंकणी काणयो (जेसन पींत) .................................. १०

१. आबोलें ........................................................................................ ११
२. आस्रो ......................................................................................... १४
३. भास आनी कास ............................................................................ १७
४. बरो पाद्री ..................................................................................... २०
५. धा जण ........................................................................................ २३
६. एक दीस पार्टी ............................................................................... २६
७. हांव आनी म्हजो व्हडलो भाव ........................................................... २९
८. हेवशीन तेवशीन ............................................................................ ३४
९. क्रिसतिनालो घोव ........................................................................... ३७
१०. मोनीं भगणां ................................................................................ ४०
११. मोरभाटांतले मोर आनी चोर ............................................................. ४३
१२. असलें एक काजार ......................................................................... ४९

- आशावादी प्रकाशनाचीं पुस्तकां (प्रिंट) .................................................... ५२
- आशावादी प्रकाशनाचीं डिजिटल ई-पुस्तकां ............................................... ५५
- आशावादी प्रकाशनाचीं डिजिटल आ (आडियो) पुस्तकां ................................... ५७

# धिन्वास



## मुकेल प्रायोजक

- मानेस्त **रोनालड कोलासो** आनी **जेन कोलासो**
- डो. **आस्टीन डिसोज प्रभू** आनी **कुटम चिकागो**

## सह-प्रायोजक

- मानेस्त **जेम्स मेंडोन्सा** आनी **शोभा मेंडोन्सा**
- मानेस्त **जोसेफ मथायस** आनी कुटम, दुभय

# [प्रस्तावन] आमगेलो कोंकणी सर्कस



रोदांचीं सोधनां जातच मनीस प्रगतेच्या पाटल्यान धांवलो आनी अपणायिल्ल्या सर्वाक विकास/प्रगती म्हणोंक लागलो. काळाक सरी जावन संसारांत बदलावण जाली. यंत्रां तंत्रां जशें मनशाच्या जिण्येचो एक वांटो जाल्लेपरीं मनशाच्या बुध्वंत्कायेचीं सूत्रां/कुतंत्रां सयत मनशान शाणेंपणीं अपणायलीं. एका पाटल्यान एक नवी नवी तांत्रिकता आनी सवलतायेक लब्दोन मनीस अपलें मूळ संयब हळतार विस्रोंक लागला म्हळ्यारी चूक जांवचिना. पूण ह्या सर्व बदलावणेंत कोंकणी मनीस आज खंय आसा म्हळ्ळें एकोडो नियाळ कर्चो गर्जेचो.

आयचो काळ आर्टिफिशल इंटलिजेन्साचो (कृतीम भुध्वंत्कायेचो), देकून हांगासर बुध्वंत्कायेंत सयत अपलो आबलेस सोधचेच शाणें. लोक बनावटिंक, फटिंक तक्षण पात्येता पूण खरी परिक्षा दीवंक पडता फकत सताक. वाचुंक बरवंक सोड्यां, आयच्या काळार आयकुंक कोणाक वेळ/फुर्सत आसा? देकून आमी जियेंवचो फेक संसारच आमचें सर्वस्व म्हळ्ळें मांदून एकामेका मासां खावन जियेंवची सवय करुंक पडल्या.

आमचो देश रिसकेर आसा, आमचो धर्म रिसकेर आसा म्हळ्ळे नारे ह्या देशांत जियेतल्यांक एकामेका मोडुंक सलीसायेची वाट. ह्या एकेका रिसकेपाटल्यान भोव शाणेपणान केल्ली घुटमोळ पळेवंक वा समजुंक कोणाक वेळ आसा. ह्या हरेका कुयुक्तिंत अपणाचो फायदो जोडपीच चड. जांव तो राजकीय, धार्मीक वा सामाजीक. कितें खातां, कितें पियेतां, कितें न्हेसतां म्हळ्ळें एकल्याच्या देश भक्तेक रुजू करुंक पडलेल्या ह्या काळार आमची समाज कांय आथवी न्हय, हेच दळडीर चिंत्पाचे भरोन गेल्यात. राज्यांत सयत आमची भास रिसकेर आसा, आमची बोली रिसकेर आसा.

कोंकणिंत सयत हें रिसकेचें व्हारें परत व्हाळ्ळां, फकत च्यार/पांच पिश्या पिक्यांनी वीक वोंकचें. भास आनी लिपी मधलो फरक सयत हांकां कळीत ना. एकलो कोंकणिंत बरयता तर तें प्रमूक शिवाय खंच्या लिप्येंत बरयता म्हळ्ळें न्हय. कित्याक म्हळ्यार दिसानदीस वाचपी, बरवपी उणें जावन येंवच्या दिसांनी बरयतेल्यांक असले दोरे उभार्च्यांत कोंकणीक कितें फायदो? बरवपी, वावराडी (activist), संपादक, प्रकाशक हे सगळे एकाच चिंत्पाचे व एकाच वर्गाचे जायजय म्हण ना. बरयतेले सगळे वावराडी (activist) जायजय म्हण ना. बरयतेले सगळे अपणाक फकत पुरसकार लाभाजय म्हळ्ळया इराद्यान बरंवचे न्हय. बरयतेले फकत साहित्य रचपी, तांचो शेवोट चडीत मापान वाचप्यांनी तांचें साहित्य वासचें

शिवाय अशीर चिंतपाच्या ह्या दोरयांनी लुक्साण जांवचें ह्या उणें चिंत्प्यांचेर मात्र. दरयांत आसा मासो आनी आळेन वाटता पिसो म्हळळ्या सांगणेपरीं, बरवंक सुरू कर्च्यादिंच वा एक दोन बरवप जातच शीदा ग्यानपीठ, नोबेल, साहित्य अकाडेमिच्या पुरसकाराची खंत कर्तेल्यांची मत निजायकी सार्की आसाकी म्हळळें ताणिंच तुर्तान चेकप केल्यार बरें. कोण सांग्तेलीं आसात म्हणून मतीक भाड्याक दीवन पात्येंवचे सयत बरवपी जावंक कितले योग्य म्हळळें अन्येक सवाल.

दोरे उभार्च्या हाणीं कोंकणी खातीर मोडलां मात्र शिवाय कितें जोडलां? हांकां कोंकणी मोग उदेल्लोच रिटायर्ड जातच. रिटायर्ड जातच रिटार्डेड मतिंत हेरांचेर थापुंक वेतात. कर्माक थोडे साहिती कंय. हाणीं बरयिल्ल्याक सुणेंय हुंगाना तर कोणाची चूक? हेरांचें साहित्य हेर भासेंनी तर्जण जायत तर ते पुरसकाराच्या लब्दोणेंत आसात म्हण गाजयतेल्यांच्या तकलेंत खरेंच कितें आसा म्हण ताणीं पयलें समजुंचें गर्जेचें. कित्याक म्हळयार असली मनोगत पिडेसत समाजेक मात्र रचुंक सक्ता शिवाय भलायकेभरीत समाजेक भलायकेभरीत चिंत्पाची गर्ज आसा. साहित्य रचन फकत पुरसकाराक लागोन जांवची म्हळळें हांच्या कट्ट्यांक वीक कोणें भरलां? गाडियेच्या मुकल्यान जोत आस्ता शिवाय पाटल्यान न्हय. पूण ह्या पिश्या पिक्यांच्या चिंत्पापरकार आमी मुकार वेच्या बदलाक पाटीं वोडचें, एकामेकाचीं मनां मोडचें आनी तांतूं समधान पांवचें हांचें हणेबरप जालां. आमीं आमच्या धोंपराक कुपां फात्रांत मार्न घेतलें तर धांवच्या सोंश्याक राववंक साध्य म्हळी एक पिशी काणीं म्हज्या भुर्ग्यापणार आयकल्ली. आतां ह्या मतिभृषट पिश्यांचीं कर्तुवां पळेतानां हे तेच खास्ताचे म्हळळेपरीं गमता. अरे बाबा - मार्न काणगेवन तुमचेंच दोंपोर दुक्तलें शिवाय धांवचो सोंसो रांवचोना.

पूण एक दादोसकाय जरूर आसा. सगळे तशें नांत, प्रत्येक जावन आयचे तर्नाटे, शिकपी वर्गाचे (शिकप म्हळयार फकत डिग्री न्हय), हे तर्नाटे ह्या पिश्या पिक्यांच्या उत्रांक मसतून फुडें वेतात आनी गेल्यात. जेदनां आमीं आमच्या समाजेच्यो मेरो उत्रोन भायर वेतांव तेदनां आमकां आमच्या तालेंताची खरी ओळोक जाता. फकत बांयतले माणके जावन अपली बांय सागोर म्हण चिंतेल्यांचेर बिर्मोत मात्र पाव्येत शिवाय हेर कितेंच न्हय. ह्या शिकपी तर्नाट्यांच्या मेळिंत म्हाका उटोन दिसचो जावनासा बाप जेसन पिंटो. मुंबंयत आयोजीत केल्ल्या एका कोंकणी कामासाळांत अजीक आट वर्साधीं पयलेपावटीं हाची ओळोक कर्न दिल्ली बाप प्रताप नायकान, त्ये उपरांत हो शिकपाक लागून पर्गांवाक पावलो पूण हाची कोंकणी वावराची वोड म्हाका आवडली. फकत वोड आसा म्हणून वावराक देंवल्लो हो न्हय. कोंकणी साहित्याची ओळोक हाका आसा, कोंकणिच्या हेर लिपिंनी आसचें साहित्य हाणें वाचलां, हेर भासेंतलें साहित्य सयत हाणें वाचलां, भासेची ओळोक हाका आसा, लिपी, बोलिविशीं मात्र न्हय कोंकणी संसारांत वेग-वेगळ्या वठारांत जांवच्या सर्कसाची माहेत सयत हाका आसा जाल्ल्यान हाचेसवें वावर करुंक म्हाकाय दुभाव नासलो. प्रायेन म्हज्याकी ल्हान पूण हाच्या कोंकणी प्रभुद्दतेचेर म्हाका

भर्वसो आसलो जाल्ल्यान 'पयणारी डिजिटल जर्नल' रोमी लिपिच्या जर्नलाचे सह-संपादक जावन हाणें वावर केला.

पूण हें पुसतक तयार जावंक फकत हीं कारणां भिल्कूल न्हय. हो एक बरो कथाकार म्हणच्याक ह्या पुसतकांतल्यो भारा कथा गवाय दितात. एक धार्मीक याजक हो जावनासा जाल्ल्यान हाच्या कथावसतुच्या विंचवणेंत कांय थोडेपावटीं अडकळयो आसुयेता. पूण हाच्या कथेंनी उटोन दिसचे विशय सामाजीक. ह्या सामाजीक विश्यांनी सयत आसचें वेग-वेगळें राजकीय, पोकोळपण, हगें, अनीत आनी समाजीक शोषण एका ना एका पात्रांनी हाणें भोव सोभीत रितीन हाडलां. समाजीक वेवस्ता आनी ह्या वेवसतेक कशें अपणाक जाय तशें वापरुंचें आनी फायदो जोडुंक मनशामोलां विस्रून कशें मुकार वेचें व वयर चडचें म्हळळें मार्मीक रितीन वर्णिलां.

आबोलें कथा वाचुंक लाग्तासतां म्हाका यशवंत चित्तालाची 'आबोलीन' कथा यादिंत आयली पूण ही कथावसत वेगळी, आस्रो अन्येका वर्गाची कथा, भास आनी कास कशें पद्वेखातीर, फायद्याखातीर मनीस अपलो स्वाभिमान आडोव घालुंक पाटीं सराना म्हळळें चिंतप उटयता, बरो पाद्री, धा जण, एक दीस पाटीं मनशा मौल्यांक आनी मनशाच्या मुळाव्या जवाभदारेक जागयता. हांव आनी म्हजो व्हडलो भाव कथा मुनशी प्रेमचंदाच्या 'बडे भायिसाब' नाटकाचें तर्जण कथा, हेवशीन तेवशीन, क्रिसतिनालो घोव, मोनीं भोगणां, मोर भाटांतले मोर आनी चोर, असलें एक काजार एकेक कथा सामाजीक विडंबनांक भोव नाजूक रितीन पिंत्रायता. ही समाज आमचीच समाज म्हण परत उचार्णी कर्ची गर्ज ना. ह्यो भारायी कथा राकणो नेमाळ्याचेर पर्गट जाल्ल्यो कथा परत परत वाचुंक मन करून दितात.

कोंकणी म्हळ्यार एका बांयतली भास न्हय, सप्तकोंकणपरीं कोंकणाच्या (गुजरात, रत्नगिरी, मुंबय, गोंय, कारवार, मंगळूर आनी कोच्चीन) अशें सात प्रमूख वठारांतली राष्ट्र भास. एका कथाकाराक अपली कथा अपल्या समाजेभायल्या वाचप्यांनी खायस कर्चें कसल्याय पुरसकाराच्याकी वर्तें. ते वाचपी अन्येका लिपिंत आसुंदी वा अन्येका भासेंत आसुंदी. ह्या दिशेन आशावादी प्रकाशन वावर करून आयलां. लिपी-लिपीं मधें, बोली-बोलीं मधें सांकव भांदची गर्ज आसा. ह्या चिंत्पाक भोव प्रभुद्द रितीन समजून सांगात दिल्ल्या बाप जेसन पिंटोच्यो हो कथा कोंकणी कथेंनी एक नवी सुर्वात म्हणच्यांत कसलोच दुभाव ना.

**- वल्ली क्वाड्रस**

संपादक, पयणारी.कोम

# [सुरविल्लीं उतरां] आम्गेल्यो कोंकणी काणयो



'कोंकणी क्रिस्ती उतरावळ' आनी 'बरो सांगाती' (भाशांतर) हीं दोन पुस्तकां उजवाडाक हाडले उपरांत, हें म्हजें तिसरें कोंकणी पुस्तक डिजिटल रुपार येताना म्हाका व्हड संतोस भोगता. हाका दोन कारणां आसात. पयलें कारण, हें पयलें कोंकणी पुस्तक जें सरळ डिजिटल रुपार वाचप्यांच्या मोबायलाचेर वा कंप्युटराचेर तांकां वाचूंक मेळटलें. दुसरें कारण, ह्या पुस्तका वरवीं कोंकणी संवसारांतल्या वेगवेगळ्या समाजाचें चित्रण दिंवची म्हजी आशा आज सार्ती जाली/ पोंताक पावली. ल्हानपणार थावनूच कोंकणी काणयो वाच्ची म्हजी आवड, हांवें खुद्द काणयो बरोवन ती आज परिवर्तीत जाल्या. ह्या वावरांत राकणो पत्राक हांव सासणाक रिणकारी. कानडी लिपये भायर, देवनागरी आनी रोमी लिपयेंत कोंकणी बरयणारांची शैली, बोली तशेंच ताणी हाताळचे कथा वस्तू म्हज्या बरपाचेर प्रभाव घालूंक शकल्यात. अशें एक समग्र कोंकणी संवसारांत हांव बुडलों, आनी आजुनूय त्या संवसारांत जियेतां म्हळ्ळयार चूक जांवची ना.

कोंकणी संवसारांतल्यो काणयो, हो माथाळो कित्याक? हो संवसार खंय आसा? कोंकणी लोक एकाच राज्यांत जियेनांत. महाराष्ट्र, गोंय, कर्नाटक आनी केरळ राज्यांनी राबितो करचो कोंकणी लोक आज संवसारभर शिंपडला. कोंकणी मनीस जंय वसती करता, थंय तो ह्या कोंकणी संवसारांतलीं तत्वां आनी मुळां ताच्या जिवितांत झळकतात. म्हणतच कोंकणी संवसार एक काल्पनीक संवसार, खरें. पूण तीच कल्पना कोंकणी मनशाच्या वास्तवीक जिवितांत लेगून आमकां पळेंवक मेळटा. वेगवेगळ्या जाती कातीचो कोंकणी लोक आमकां ह्या काणयांनी भेट्टात. तांचे जिणये सांगाताच तांच्या सामाजाची झळक आमकां मेळटा.

आशावादी प्रकाशनाच्या मुखेलपणा खाल, पयणारी डोट.कोमाच्या संपादक श्रीमान वल्ली क्वाड्रूस, आजेकार, हांच्या बऱ्या मनान हें डिजिटल पुस्तक देवनागरी आनी कानडी लिपयांनी तुमच्या स्क्रीनाचेर तुमी वाचतात. तांचो हांव उपकार बावुडटां आनी कोंकणी खातीर करच्या खळमीत नाशिल्ल्या तांच्या वावराक चड आनी चड बरें मागतां.

.... तर तुमच्या स्क्रीनाचेर कोंकणी संवसारांत प्रवेश जांवक तयार आसात मू?

**- जेसन पींत, SDB**

उद्यावर- उडुपी

# आबोलें

“आगे, तिका आबोलें कितें म्हणटात?” हो प्रस्न हांवें कितले पावटीं आईक आनी बाबाक विचारला. पूण अजून मेरेन ताची जाप म्हाका मेळूंक ना. आबोलें हें एक फूल म्हूण हांव जाणा. तिचे सोबितकायेक वर्णून तिका “आबोलें” म्हणल्यार म्हज्यान समजूंक जाता. पूण सत्तर वर्सांची आमच्या घरा भोंवती काम करपी आबोलें त्या वर्णानाक फावो न्हय, हें मात सत.

आंगान बारीक, तोंडार फोडी, हात सदांच मातयेंत बुडून काळे, हाताची आनी पांयांची कात सुकून तिचें रुपणेंच म्हाका विचित्र दिस्तालें. असले गती पाश्ट बायलेक आबोलें हें नांव कित्याक?

कोंकणांतल्या एका फामाद शारांत हांव जल्मल्लों. शाराचो आंकडो दिसान दीस वाडतूच आसलो. हेर भाशीक हांगा येवन राबितो करताले. हाका लागून शाराची भासूच बदलून आशिल्ली. “भायले” म्हाका पसंत नासले. तांणीं तांच्याच गांवांनी रावचें आनी वावुरचें म्हणलो म्हजो अभिप्राय.

“प्रमोदबाब फाल्यां आमी गावडाळ्ळी वतात... तुका येवंक खुशी आसल्यार अरविंदाक कळय....टिकेट बूक करूंक...” विशालान म्हाका वॉट्सेपार मॅसेज धाडिल्ली, हांवें वाचली. समाज सुदारपी विशाल म्हज्याच मताचो आशिल्लो, मात साहित्याची ओड ताका नासली.

गावडाळ्ळी विशीं साबार पावटीं हांवें आयकलां आनी नेटार बी वाचलां. पूण थंय म्हज्या सरकेल्या मनशाक कांय आसचें ना म्हूण हांवें लेखलें. “तुमी वचा... हांव येवंचो ना” म्हजी मोटवी जाप तांकां.

***

हांव एक कोंकणी लेखक आनी म्हाका म्हजे भाशेचो हिसपा भायर मोग आनी अभिमान. शारांतल्यो कविगोश्टी जावं, लेखक संघाचो मेळ वा राष्ट्रीय पांवड्यार साहित्य संमेलनां जावं, असल्या सर्व घडितांनी हांव हाजीर आस्तालों. खादी कुर्तो, एक कॉटन पॅन्ट, खांदार एक पोतें आनी बोलसांत एक लेखणी सदांच आस्ताली. लेखक प्रमोदबाब म्हूण शाराचो लोक म्हाका वळखतालो.

समाजांत देवाच्या नांवान ऊंच नीच वर्गीकरण, धर्माच्या नांवान जावंच्यो लडायो पळोवन हांव नास्तिक जाल्ल्यान खंयच्याय समुदायादो लोक म्हाका आपलो म्हण लेकिनासलो. मनशापण होच सवोच्च धर्म म्हूण हांव लेखतालों.

जिविताच्या वेगवेगळया गजालींचेर नियाळ करून, कवनां रुपार आनी काणये रुपार त्यो गजाली हांवें उतरायिल्ल्यो. म्हज्या थोड्या पुस्तकांक मान संमान लाभून म्हाका एक दोन प्रशस्त्योय फावो जाल्ल्यो.

म्हज्या कोंकणी समाजाच्या दर एका वर्गाच्या लोकाक हांव मेळ्ळां. तांचे सांगाता रावलां. तांचो इतिहास आनी तांची लोक जीण कितें म्हूण बारिकसाणेन हांवें पळयल्या. ह्या सर्व गजालींचो म्हाका अभिमान भोगतालो.

***

एक कवन बरोयतां हांव म्हज्या कुडांत आयलों. निवळ वारें घेवंक हांवें जनेल उगडलें. “कर्क कर्क” तोच आवाज. तो आवाज तिचोच, हांव जाणा.

आबोलें हातांत सारण घेवन आमच्या बिल्डींगा बगलेन कचरो एकठांयताली. तिका देखतच म्हज्या चिंतनांचो व्हाळ मातसो भंगलो. तिचे कडे उलोवंक हांवें केन्नाच चिंतूंक ना.

आज जाल्यार नक्की उलयतलों

मोबाईल चार्जींगाक दवरलो आनी घडबडून हांव रस्त्यार काम करतले आबोलें मुखार हाजीर जालों. आई आनी बाबा देवस्थानाक गेल्लीं, अजून घरा परतलीं नांत.

“आगे....” तिचे लागीं पावतच हांवें तिका दिवचो आसलो मान दिवन म्हणलें. “तुका जायत्या तेंपा थावन हांव पळयतां... तुजो हो वावर तोखणायेक फावो..” हांवें तिका वाखाण्णेचीं दोन तीन उतरां सांगलीं. पूण आबोलें कांयच उलयली ना.

तशें तिणें उलयिल्लें हांवें केन्नाय आयकल्लें ना. तरी म्हाका तिचे लागीं उलोवंक मन जालें. तिचे विशी, तिच्या घरा विशीं हांव जाणा जावंक सोदतालों.

एका लेखकाक काणी मेळटना कित्याक सोडची?

तिचे लागीं उलोवंक प्रयत्न करीत आसतना, शेजारचो विठ्ठल शेट पाशार जालो. ताणें म्हाका देखतच सांगलें, “कितें रे प्रमोदा, आज तुका कांय काम ना... असल्यां कडे उलोवन तुजो वेळ पाशार करता...”

“असल्यां कडे म्हणल्यार कितें, विठ्ठलबाब, तुमकां आबोलेंची वळख ना तर?” हांवें विचारच्या प्रस्नांक राग आनी जाती वेवस्था विशीं आसलो म्हजो शीण झळकतालो. पूण ताचे कडे झगडूंक म्हाका नाका आसलें. हांव फकत आबोलें कडे उलोवंक सोदतालों.

आपल्या कपालाक हात मारून विठ्ठलबाब फुडें गेलो. म्हजीं सवालां ताका तोपलीं म्हूण भोगलें म्हाका. “त्या गावडाळ्ळीच्या लोका थावन जागरूत राव!” बोट जोकून तो म्हाका चत्राय सांगीत गेलो.

“गावडाळ्ळी....” म्हजे दोळे मिणमिणले.

“ओ, तर आबोलें गावडाळ्ळीचें..” म्हज्या मना भितरूच तर्क केलो.

आमचें हें उलोवणें चलतालें. पूण आबोलें आपल्या कामांत व्यस्त आशिल्ली. तिच्या दोळ्याची आसडी सयत हाल्ली ना. तिचे लागीं आनी कितें उलोवचें म्हूण चिंतून हांव परत म्हज्या घरा गेलों.

पूण तिच्या गांवांक नक्की भेट दितलों म्हूण हांवें थारायलें. अरविंदाक मॅसेज धाडली.

आबोलेंचें तें पिंतूर म्हज्या मनांत परत परत येतालें. तिचो तो काळसो रंग, तिणें न्हेसचें तें पिंजकर भिगडल्लें कापड आनी तिच्या हातांत आसची ती सारण.

जेवण जातच हांव खटल्यार आड पडलों. कवनां वा काणी, कांयच म्हाका सुचनासलें. फकत आबोलें विशीं म्हजी आतुराय.

फांत्यारूच अरविंदान गावडाळ्ळी वचूंक टिकेट काडिल्ली. शारा थावन गांव, गांव सोंपतच रान.... बशीची वाट कशी बदल्ली म्हुणूच कळ्ळें ना. सरी सुमार एक वरार घुंवोवन घुंवोवन ड्रायवरान आमकां पावयलें. आमी सुमार तीस जण प्रचाराक थंय पाविल्ले.

हे म्हजे पंचवीस वर्सांचे पिरायेर, जिवितांत पयले पावटीं हांवें आज रान पळयिल्लें.

“आमी पावले....” विशालान आमकां कळयलें.

“आमकां जर भारताची उदरगत करूंक जाय, तर आमी हांगा थावनूच सुरू करूंक जाय. सरकारां फकत गांवांचें शहरीकरण (urbanization) करच्यांत पिशे आनी शारांचे smart cities..” विशाल खतखत्यान उलयलो. विशालाचो हेर समाज सुदारप्यां कडे बरो संपर्क आसलो. ताच्या उतरांनी आनी करण्यांनी तें दिस्तालें.

“भायल्यां” विशीं जायते पावटीं आमची हुनहुनीत भासाभास जाल्ली.

भायल्यांक आदार दिवन तांकां आमचे मदें बरे नागरीक करच्या ताच्या चिंतपाक म्हजो खर विरोध आसलो.

“तांणीं तांच्या तांच्या राज्यांनी वच्चें.... सुदारीत जावंक... आमच्या गांवांत कित्याक?” हें म्हजें मत.

“इश्टांनो....” विशाल आमकां पळोवन उलयतालो. “... आमी हांगा येवचो हेतू तुमी जाणात. वेंचणुको लागीं पावल्यात... ह्याच वर्साच्या अर्दांत राष्ट्रीय पांवड्यार वेंचणुको.... सरकारा कडे आमी हिशोब मागूंक आसा...” तो तापून उलयलो. सरकारी चाकरां आनी मंत्री आड ताणें दिसाळ्यांनी आनी राजकीय नेमाळ्यांनी जायतें बरयिल्लेंय आसा.

“....ह्या गावडाळ्ळीच्या गांवांत फाटल्या स वर्सा थावन वीज आनी उदक आमच्या आदल्या मंत्रीन भासायिल्लें... खंय गेली ताची भासावणी?” ताणें आनी एक सवाल उडयलें.

ताचें तें भाशण सोंपतच आमी थंयच्या थोड्या घरांनी भेट दिली.

तांच्या घरची गत एकदमूच वायट आसली. घरांत उजवाडाक अजुनूय तीं चिमणे तेल वापरतालीं. हें सगळें चित्र पळोवन शारांत ल्हान व्हड जाल्ल्या म्हाका आनी म्हज्या सांगात्यांक मातशी उबगणशी जाली.

“आपूण आपणाक, देव समेस्तांक...” हांवें म्हज्या मती भितरूच म्हणलें.

आमकां कित्याक पडलां तांचें?

विशालाक समाज सुदारणा संगी इतिहासाचीय बरी जाणीव आसली.

तांचो मुखेली हातांत तोणको घेवनूच आस्तालो खंय. तोच जावन आमकां भेटलो.  विशालान परत सुरू केलें.

“... ह्या गांवचो लोक आदीं आमी आशिल्ल्या शारांनी शेता भाटांनी वावरून आपलो दिसपट्टो गिरास जोडटालो. तांकां वेळीप म्हणटात. आनी तांची आपलीच एक संस्कृताय आसा. तांचो मुखेली तांचो धार्मीक गुरू तसोच तांच्या जम्याचो मुखेली... जसो जसो भायलो लोक वस्ती करूंक आयलो, तांणीं हांचे आड झुजून, लडाय करून तांकां चाकरां करून रानांनी वस्ती करूंक धाडलो... ज्या ज्या मळ्यांनी, शेता भाटांनी तीं वावुरतालीं, त्या त्या मळ्याचे नांव तांणीं घेतलें.”

देखून दिस्ता... आबोलें हेंय नांव तिका लाभलें! म्हजी जाप म्हाका मेळ्ळी.

विशालाचें हें उलोवप म्हाका नवेंच.

“तशें जाल्यार आमी सगट भायले!” विशालान सांगच्या उतरांनी म्हाका सत दिस्तालें .

काळा परमाणें स्थळांतर जावच्या लोका मदें कोण भायले, कोण भितरले?

कूड म्हजी गावडाळ्ळी आसली, पूण मन आबोलेंच्या हातांत आसले ते सारणीचेर. ज्या हांतांनी तांणीं आमचे भुंयचेर राज केल्लें, आज तेच हात कचरो एकठांयतात.

---

राखणो, मार्च 15-21, 2019-चेर पर्गट जाल्ली म्हजी कथा.

# आसरो

“आयलो म्हातारो” मीस जातच घरा फाटीं येतल्या पप्पाक देखतच प्रमिळा हिणसून उदगारलें.

“प्रमिळा... तो म्हजो बापूय, ह्या घराचो व्हडील...तुजो मांव, आमच्या गांवचो एक लोका मोगाळ नांव व्हेल्लो व्यक्ती. तुकाय एका बापाय परीं... तुजी जीब सांबाळून उलय...” हांवेंय रागान दिलें तिका.

“हां... सुरू जालेंगी तुजें आज सकाळीं सकाळीं फुडें...” तिणेंय सोडून दिलें ना. पप्पाक लागून हें आमचें सदांचें केस्तांव. हे विशीं हांव निजायकी कंगाल जावन गेल्लों. कितें करचें म्हळळें म्हाका समजलें ना.

प्रमिळा संगीं हांव चार वर्सां आदीं लग्न जाल्लों, मात आमकां भुरगें फावो जालें ना. आंगोवण्यो केल्यो, मागणें रजार सर्व करून पळयलें, पूण ताचो कसलोच प्रतिफळ आमकां मेळ्ळो ना.

मांय आमकां सासणाक सोडून वेतना हांव धा वर्सांचो नेणटो भुरगो. आनीलबाबाची पी. यू. सी. जाल्ली मात. मांयच्या उगडासाक पप्पान आपल्या काजाराचो सूट न्हेसचो आसलो.

म्हाका ल्हान व्हड केल्ल्या म्हज्या बापायक अशें वीक वोंकतना म्हजे मतीक धोस्तालें.

“प्रमिळा, पप्पान तुका कितें वायट केलां... बेश्टें तरी तूं ताचेर खुबळाताय कित्याक?” म्हजो राग न्हिवंले उपरांत म्हजे पतिणीक फूड करून मोवाळायेन हांवें विचारलें.

“आळे सिरिला...” तिचें बोट मातशें उबारून... “तुज्या बापाय थंय म्हाका कसलीच दुस्मानकाय ना... पूण तो ह्या घरा आसतना, म्हाका म्हजें freedom मेळना” तें तर्क करिलागलें.

“बट्...प्रमिळा, ह्या विशयाचेर आमी येदोळूच उलोवन जालां न्ही भांगारा... तर परत परत कित्याक तें उस्तिताय तूं?” हांवें तिचो हात धरलो.

तिणें हात सुटोवन, “...तो आतां तरणाटो कोंबो न्हय सिरिला, ताची चाकरी करूंक म्हाका जायना... हांव कोण ताचें servant girl गी?” तिचें उलोवणें म्हाका मेचवतालें. पप्पान उठल्या बसल्याक प्रमिळाक आपोवंचें आसलें. सत्तराची पिराय ताका लागिल्ली.

पूण “तो म्हजो बापूय... darling... हांवें कितें करचें म्हणटाय तूं?... अनिलबाबा मुंबय रावता आनी थंयचो हवो पप्पाक जायना.” हांवें म्हजो तर्क तिका सांगलो.

“ताका मुंबय धाडूंक जाय म्हूण कोणें सांगलें?... हांगाच मंगळुरांत एका पिरायवंतांच्या आसऱ्यांत दवरल्यार जायना गी?” तिणें तिचो वाद म्हजे मुखार मांडलो.

मात म्हाका हें पसंद नासलें. म्हज्या पप्पाक एका आसऱ्यांत!

म्हाका चिंतूंक सयत जायनासली संगत ही. हे विशीं प्रमिळाची आनी म्हजी जायती भासाभास जाल्या तरी तें समजूंक तयार नासलें. दिसाक दोन पावटीं तरी हो विशय तें काडटालेंच.

पप्पा ओगोच येवन मेजावेली चा गोबळ्यांत ओतून पियेलागलो. ताच्या तोंडांतल्यान एकूच एक उतर भायर सरलें ना.

चायेचो निमाणो घोट सोंपयिल्ल्या उपरांत... “प्रमिळा तुका वेगींच एक बरी खबर म्हाका दिवंक आसा...” तिकाच पळोवन तो उलयलो.

“तुवें हांगा थावन वच्चे परस आनी खंयची बरी खबर म्हज्या कानार सादची?...” प्रमिळाचो तो रागिश्ट सभाव परत झळकलो.

तिका आनी कांय सांगूंक म्हाक धैर जालें नां. प्रमिळाचें एकूच पद – पप्पाक आसऱ्यांत घालून आमी दोगांनीच ह्या घरा रावचें.

पूण पप्पाक तसले गतीर घालूंक म्हज्या काळजांत म्हाका कितें तरी भोगतालें. आपल्या जिवितांत एकसूरपण सोंसून दोगां जणा चेरक्या भुरग्यांक वागयिल्ल्या म्हज्या पिरायेस्त बापायक कशें म्हूण हांवें आसऱ्यांत घालचें?

हांव म्हजे मती भितर हीं चिंतनां नियाळटालों.

***

त्या दिसा हांवें प्रमिळाक दोन तीन पावटीं मोबायलाचेर कॉल केलें. पूण तिणें म्हजें तें कॉल स्विकार केलें ना. खंय आसा गाय म्हजी घरकान्न? हांव आख्खो आकांतीत जाल्लों.

प्रमिळा घर सोडून तरी गेलां व्हय?

खंय गेल्लें म्हूण कोणाकूय खबर नासली. शेजारा पिरेरीगेर आनी टॉमासाबाक हांवें फॉन केल्लें. तांकांय कळीत नासलें. हताश जावन हांव घरा आयलों.

हांव घरा पावतच पप्पान म्हाका ताच्या कुडाक आपयलें.

प्रमिळा विशीं तो कांयच उलयलो ना. पप्पान कितें पुणी... शी शी तसलीं चिंतनां म्हजे मतींत, म्हज्याक पप्पा विशीं... म्हाका आयलीं कशीं?

“पुता, हांव आसऱ्यांत वचूंक तयार आसां” भोगणां विरेत मुखामळान ताचें हें सादें वाक्य आयकतना म्हजेर झगलावणें मारिल्ले परीं भोगलें म्हाका. एकाच दिसा म्हज्या घरचीं दोगां जणां म्हाका सोडून वतात गी म्हूण हांव खंतिस्त जाल्लों.

“पप्पा तुला सोडून हांवें रावचें कशें?” भोगणाभरीत जाल्ल्या एका पुताचें सवाल हें. “तुका सांबाळचें म्हजें पयलो कर्तव्य... तुका आसऱ्यांत घालूंक म्हाका नाका... प्लीझ, तसलीं चिंतनां तुजे मतींतलीं काड पप्पा” म्हजे दोळे दुकांनी भरिल्ले. म्हाका सोंसूंक जालें ना. पप्पा थंय हांव खूब सिंतिमेंताळ जाल्लों.

प्रमिळाचो मात अजून पत्तो नासलो.

आज पयले पावटीं म्हाका सांगिनास्ताना प्रमिळा घरा थावन भायर गेल्लें.

हा! कसलो पती हांव! म्हजे भितरूच म्हाका चाबतालें.

पप्पान म्हज्या भुजांचेर आपलो हात दवरून “सिरिला... ह्या संवसारांत तूं आनी अनिल म्हजीं दिरवीं. तुज्या जिवितांत तुमी संतोसान रावले शिवाय म्हाका आनी कांयच नाका” तोय दुखेस्त जाल्लो.

“हांवें पिटर पाद्र्याबा कडे उलोवन जालां... हांवें एका आसऱ्यांत भरती जावंक ताचो उपकार मागला... तो फाल्यां भितर म्हाका कळयतलो म्हूण ताणें सांगलां,” आपल्या बोल्सांत आशिल्लो एका कागदाचो दुडको काडीत तो म्हाका सांगिलागलो. त्या कागदा कुडक्यार बहुशा त्या आसऱ्याचो पत्तो ताणें बरयिल्लो.

जुस्त सांजेर पांचांक प्रमिळाचो म्हाका फोन आयलो. हांवें कांपेऱ्या हातांनी तिचो कॉल स्विकार केलो.

“पप्पा खातीर म्हाका एक बरो आसरो मेळ्ळा... पाद्र्याबान तुका साबार पावटीं ट्राय केलें, कॉल करूंक... मागीर ताणें म्हाकाच आसऱ्याचो पत्तो आनी संपर्क नंबर दिलो... हांव वालेन्सिया आसां... सिस्टर मार्गरेट हांगाची व्हडिलन, आमची बरी दोस्ती जाल्या... ती पप्पाक भरती करूंक तयार आसा खंय...” प्रमिळा उलोवनूच आसलें. म्हाका एक शब्द उलोवंक तिणें सोडलें ना.

“म्हाका पिकाप करूंक बस स्टॉपार ये...” तिचें अखेरेक एक फरमान. प्रमिळाचो हो सभाव पळोवन म्हाका कशें वागचें म्हूण कळ्ळें ना. पप्पाचें आयकून आनी आतां प्रमिळाचें हें आयकून हांव पिसांतूर जाल्लों.

“जावं सायबा....” हांवें सुस्कार सोडलो.

“पप्पानूय वच्चें मन केल्लें, प्रमिळानूय इतली उचांबळाय केल्या... त्यो माद्री पप्पाक बरें करून पळोवंदीत” हांवूय ओपवालों.

प्रमिळाक बस स्टॉपार हांव भेटालों. म्हजो फॉन काडिनासल्याक, कोणाकूच सांगिनासतना घर सोडून गेल्ल्याक तिका समा दितां म्हूण मन जाल्लें म्हाका. मात हांव कांय उलयलों ना.

“धर हें फॉर्म... प्रवेश पत्र...” घरा भितर मेट दवरतच प्रमिळा म्हणालें. तिचें हें वर्तन पळोवन म्हाका आनिकूय अजाप दिस्तालें.

“इतलो आमसर कित्याक तुका?” हांवें आतुरायेन विचारलें तिका.

“पुरो तुजें, सिरिला... तुका हांव जाय वा पप्पा जाय म्हूण तूं आजऊच निर्धार कर.” चार वर्सांच्या काजारी जिवितांत म्हजे बायलेचीं हीं उतरां आयकतना म्हजेर दोंगर कोसळून पडले परीं भोगलें म्हाका.

प्रमिळा वा पप्पा, कोण म्हज्या जिवितांत मोलादील, हाची जाप हांवें कशी सांगची. प्रमिळान तरी समजून घेवंक जाय... म्हजे मती भितर हीं चिंतनां व्हाळटालीं.

“प्रमिळा... कितें उलयताय तूं?” हांवें तिका समजोवंचें निर्फळ प्रयत्न केलें.

“तर धर हें फॉर्म...” तिका कळीत आसलें, म्हज्या जिवितांत म्हाका म्हजी बायल जाय आसली म्हूण. फुमारून हांवें तें फॉर्म भरलें.

आसऱ्याच्या प्रवेश पत्राचेर पप्पाची दस्कत मागूंक हांवें पप्पाच्या कुडाचें दार बडयलें. पप्पान दार उकतें केलें ना. आमचे मदलें उलोवणें तो आयकतालो कोण्णा!

हांवें परत दार बडयलें. म्हाका जाप मेळ्ळी ना. हांव आकांतलों.

शेकीं हांवें भियान दार बडोवन, हांव पप्पाच्या कुडांत रिगलों. कदेलार बागोवन बशिल्ल्या पप्पाक हांवें आफुडलें. ताची कूड थंड जाल्ली.

ताच्या हातांत तोच कागदा कुडको हांवें देलो.

सकला एक फॉन नंबर आसलो. हांवें त्या नंबरार तुरंत फॉन केलो. दो. रिच्चीन “हांवें तुका एक गजाल सांगूंक आसा सिरिला, पप्पाक आदले पावटीं काळजाचो स्ट्रॉक आयिल्लो आनीक पावटीं आयल्यार ताणें वांच्चें कश्ट” हांवें ताका विचारचें पयलें तोच उलयलो. निशब्द, हांवें कॉल कातरलें.

प्रमिळा वा पप्पा... म्हज्या जिवितांत कोण मोलादीक म्हणली जाप पप्पान आपल्या त्यागा वरवीं म्हाका दिली.

# भास आनी कास

सकाळीं थावन त्या दफ्तरांत बसून हांव कंटाळ्ळों.

बारा वाजलीं तरी तिचो पत्तो ना. हांव पिसवल्लों. ती आयिल्ल्या तक्षण तिका सारकें वाजयतां म्हूण म्हाका भोगलें. म्हज्या पिकिल्ल्या केंसांक ती थोडो तरी मान दीत.

हांव थंयच पेपर वाच्या कामांत बुडिल्लों.

ती "मॅडम" भितर रिगच्या पयलें सेन्टाचो धमधमीत परमळ थंय विस्तारलो. तेन्नाच "मॅडम बंद्रु " म्हणलो एक ताळो हांवें आयकलो. दफ्तरांत आशिल्ल्यांचो जिन्नसूच बदल्लो. बेकार आशिल्ले, वेळ पाशार करपी अचानक कामांत मग्न जाल्ले परीं करिलागले. तिच्या येण्या वरवीं त्या झेमेल्ल्या दफ्तराक जाग जाली.

हांव तिकाच पळयत रावलों. तिचो दावो हात तिच्या केंसांनी रिगिल्लो आनी उजवो हात मॉबायलाच्या स्क्रिनार.

ती आयिल्ले तक्षण सर्व शिबंदी उबे रावले. हातांत सितम्मा सारण घेवन आसली, ती सारण सोडून "नमस्ते मॅडम, नमस्ते मॅडम" म्हूण दोन पावटीं उदगारली, कदेलार बसून झेमेतालो रामण्णा अचानक नीट जालो आनी तोय तकली बागोवन भियान, कांपेऱ्या हातांनी "नमस्ते मॅडम म्हूण उदगार सोडिलागलो.

दळबार मदें राणी प्रवेश जाल्ले परीं "मॅडम" आयली. सर्वांनी नमस्ते करतना म्हजोय हात हड्ड्याशीं गेलो. हांवेंय नमस्ते केलें, तकली मात बागयली ना.

नाकार मातसो घमंड, दोळ्यांनी सळसळचो राग, ओंट चाबून ती आपल्या कॅबिना भितर रिगली. ती भितर रिगतच आमी सगट बसलीं.

"नीवु होगप्पा!" म्हजे बगलेक बशिल्ले एके पिरायेस्त अस्तुरेन म्हाका हात दाखोवन विनयलें. हांव उठलों. म्हजो कुर्तो सारको केलो. ओक्लाच्यो कांची पुसून हांवें हाडिल्ल्या कागदाचेर परत एक पावटीं दिश्ट घालून पळयलें. हांव मातसो कावजेतालों .

कितेंय चड्डणें जावन परवानगी मेळना जाल्यार! म्हज्या काळजाची धांवडी जरा वाडली.

मात हांवें म्हाकाच समजयलें आनी हांव तिचे मुखार प्रकटलों.

ह्या कन्नडिगा गौडा लोकां लागीं उलोवंक म्हजी कन्नड उतरां उणीं पडटालीं म्हणलें म्हाका एके रितिचें भें आसलें. कन्नड फकत उलोवन मात शिकिल्लों शिवाय वाचूंक बरोवंक हांव ती नेणा आसलों.

आमी कोंकणी... कारवारी.

आमच्या गांवची भास, पेंटेची भास, घरची भास... सगळी कोंकणीच आसतना तांची कन्नड कशी येवची?

पूण भितर मेजार बरयिल्लें मॅडमाचें आड नांव वाचतना काळजाक इल्लें समाधान जालें. "श्रीमती शीला नार्वेकार"... तीय आमगेली म्हण भोगलें म्हाका.

"मॅडम, मे आय कम् इन्..." हांवें इल्ली इंग्लीश तासली.

"ओळगे बन्नि " तिचो तुरंत प्रतिसाद.

“ऐन् बेक निम्गे ” ती खंयच्या तरी एके कन्नड बोलयेंत म्हाका विचारी लागली.

“निमगे कोंकणी... येता व्हय?” हांवें आशेवन जीब चाबून विचारलें. म्हजें काळीज उमाळून भरलें.

इतली वर्सां हांव ह्या दफ्तरांत आयलां, आनी कोंकणींतच हांवें म्हजीं सगळीं कामां करयल्यांत म्हणटना, आयज म्हाका तीच आशा आसली, हे नवे मॅडमा थावन.

“कन्नड कन्नड...” तिणें म्हाका मदेंच कातरलें. हांव सगळो निराश जालों. महजेर गुडो कोसळळे परीं म्हाका भोगलें. म्हाका म्हजी मांय भास कोंकणी आनी इंग्लीश शिवाय आनी खंयचीय भास बरे रितीन येनासली.

कशेंय धैर करून हांवें बांय खोंडूंक आसची म्हजी अर्जी तिचे फुडें दवरली. एक धांवती नदर मारून तिणें ती वाचली. म्हाका आदार दिल्ल्या माधवाची कन्नड अक्षरां निजायकी सोबीत आसलीं. ताणेंच अनुवाद करून ती अर्जी बरयिल्ली. “केळि ...” तिचें मुखलें उलोवणें परतून कन्नड भाशेंत तिणें केलें. हांवें तिका समजूंक निर्फळ प्रयत्न केलो. हांवें आनी मुखार कितें म्हणचें म्हळळें म्हाका कळळें ना.

शेकीं म्हाका तुकलायले परीं ती विचारी लागली, म्हाका अर्थ जालें वा ना म्हूण, वा कोणाक आपोवंक जाय... कोंकणींत समजोवंक. म्हाका आयलो राग.

आपूण खुद्द एक कोंकणी अस्तुरी जावन, आपणाची भास उलोवंच्या बदलाक म्हजीं खेळकुलां करतागी!

“नमस्कार, अर्थायतु ” म्हजी मोडकर कन्नड उलोवन थंयचो निकळळों. म्हजें आंग मात रागान शिजतालें. म्हाका... एका कोंकणी मनशाक हो अकमान सोसूंक जालो ना... आनी तेंय म्हज्याच मांय गांवांत.

***

1955 वर्सा संयुक्त कर्नाटक चळवळ हुंबरार आसतना हांव अर्दी चड्डी घालून कन्नड बावटो घेवन भोंवचो, शाळेक वच्चो ल्हानसो नेणटो भुरगो.

आमचें कारवार, हो एक कोंकणी गांव म्हळळयांत कसलोच दुबाव ना. 1939 वर्सा माधवबाब शाणभागान आपयिल्ली पयली कोंकणी परिशद आमच्याच गांवांत जाल्ली. तेन्ना आमचो हो वाठार कोंकण राज्यांत विलीन जातलो म्हळळे आशेन हांव जियेतालों. पूण कोंकण राज्याचो मुखेल अंश गोंय मेकळें जाल्ले शिवाय, हें सपन ज्यारी जावंक आनिकूय वगत आसलो. देखून हांवें तेन्ना म्हणसर म्हजो पाटिंबो संयुक्त कर्नाटक चळवळेक दिल्लो.

पूण 1960 वर्सा गोंय मेकळें जातच थंयच्या कांय बुदवंतांनी आपणाची भास मराठी म्हूण पाचारली आनी महाराष्ट्रांत विलीन जावंक ते अथ्रेकले. आमचें कारवारकारांचें सपन तशेंच उरलें. मागीर आयली आमचेर कर्नाटक सरकार.

ह्या सरकारान आपल्या कन्नडिगा लोकाक हांगा हाडून, आशिल्ल्या सगट सरकारी पदवेच्यो सुवाती तांच्याच लोकाक नेमक करून भरल्यो. आमच्या तसल्या फकत कोंकणी जाणा आशिल्ल्यांक कांयच मेळळें ना.

पदवे खातीर आमचोय लोक कांय पाटीं रावलो ना. आमचे मदल्या कांय जणांनी आपली भास सोडून, ते परके भाशेचे फाटल्यान गेल्लेय आसात.

“भास म्हत्वाची न्हय, पूण कास जोडचें म्हत्वाचें” म्हूण तांकां भोगलें कोण्णा! वा दुसऱ्या उतरांनी सांगचें जाल्यार – मांय भासगी पोटाची भास, खंयची आमी विंचचीं?

***

भुरगेपणाचीं हीं चिंतनां म्हचे मतींत खेळून आसतना म्हजे घरकारणीचें म्हाका कॉल आयलें.

“घरा येतना सागिल्लो सामान आनी मासळी हाडूंक विसर नाका... उगडासान सगट हाड” तिचें सदांचें परीं म्हाका फरमान.

दफ्तरा थावन हांव भायर आयलों. म्हजो घाम पुसलो आनी बोल्सांत आशिल्ली बायलेन दिल्ली पट्टी हांवें काडून, तिचेर म्हजी नदर चरयली. रांदवय आनी मासळी एक सोडून, उरिल्लो सगळो सामान शेणैमामाल्या आंगडींत घेवचें हांवें येवजिलें.

शेणैमामाक नमस्कार करतना तो खुशेन फुल्लो. साबार दिसा उपरांत आमची भेट जाल्ली.

“तुमगेलें निवृत जिवीत कशें पाशार करतात तुमी?” तो म्हाका मोवाळायेन विचारी लागलो. “अशेंच घरचें काम आनी इश्टा मित्रांक मेळून दीस काडटां...” म्हजी ताका मोटवी जाप.

दफ्तरांत घडिल्ली हकिगत आजून म्हजे मतींत जिवाळ आसली.

ताचे आंगडी थावन जाय जाल्ल्यो वस्तू घेवन हांव पेटेंत पावलों, मासळी घेवंक.

खारवी बायलो म्हाका पळोवन “हांगा, मासळी घेया... एका वांट्याक तीस” म्हूण पिंजकर ताळयान म्हाका आपयताल्यो. हांवें दोन तीन कडे इल्लें मोलायलें. मात ताणीम थारायिल्ल्या मोला थावन सकला देंवक त्यो तयार नासल्यो. हांवें ताल्ले, बांगडे, धडूयारे आनी सुंगटां म्हूण एक चार पांच नमुनेची मासळी विकती घेतली. बरी ताजा मासळी फावो जाल्ल्याक देवाक आर्गां!

घरा बायलेची शाबासकी मेळच्याक आशेलों.

हिमसाणेच्या त्या वासांट... अकस्मात तोच सकाळींचो परमळ म्हज्या नाकाक आडचलो.

कोण... खंय थावन येता हो परमळ म्हूण हांवें फाटीं वळून पळयलें.

मॅडम लोखाटो घेवन त्या खारवी बायलां लागीं मोल करून आसली. “ते अशिक्षीत भारव्यांक कांय कन्नड येना,” हांव म्हजे भितरूच तर्क करी लागलों.

तर आतां ती खंयची भास उलयता गाय म्हूण जाणा जावंक हांव अश्रेकलों.

“कितें गो बाय, इतलें चड मोल सांगताय तूं, तुमी आमचीच मुगो.. इल्लें कम्मी कर्न दी गो बाय” हें अपूट कोंकणी वाक्य म्हज्या कानार सादलें.

“तूं आमची मुगो.....” हीं उतरां आयकतना म्हाका एक आपलेपण भोगलें. तेन्नाच तिची नदर म्हजेर पडली.

हांव तिका पळयतालों म्हूण तिका कळ्ळें दिस्ता.

आनी कसलोय विशय ती उलयली ना, मात “कितें करचें गोपालमाम... कास जोडूंक भास सांडची पडता... आज कोंकणी सोडून कन्नड वेंगयली, फाल्यां इंग्लीश...”

मासळेची हिमसाण तिच्या सॅन्टाचो परमळ लिपयतना, तिचीं उतरां म्हाका चिंतनांच्या एका गूंड सागरांत बुडयत गेलीं. हांव निशब्द जावन थंयच रूख जालों.

# बरो पाद्री

"तूं करतलोय तें समजून घे. तूं हातांत घेतलोय ताची देख घे. खुरसार खिळायिल्ल्या जेजू सारकें तुजें जिवीत जावं" म्हज्या भाच्या रोशनाचे जोडिल्ले हात धरून बिस्पान ताचेर मागणें करतना म्हजी मत म्हजे ओर्दी दिसा पावली. म्हाका ओर्द दिल्ल्या म्हज्या बिस्पान म्हजे लागीं उलयिल्ले परीं म्हाका भोगलें.

आदल्या वर्सा म्हज्या याजकपणाचो रुप्योतस्व हांवें समारंभलो. व्हय... याजक जावन म्हाका पंचवीस वर्सां जाल्लीं. एका पन्नास साट वर्सांच्या पाद्र्याबाक आसच्यो सर्व पिडा शिडा म्हाकाय आसल्यो... ब्लड प्रेशर, गोड मूत, दोळे वळचे, सट्ट करून येवचो तो राग आनी विगार म्हूण नेमिल्ले उपरांत चडिल्लो हंकार ....

गल्फा थावन चार्लीन, रॉनीन, बेंगळूर थावन जुलीबायेन आनी मुंबय थावन मोदोर्नीन सुमाराचो दुडू जमोवन एकदम गद्दळायेन जुब्लेव आचारलो. हांवें नाका म्हळ्यारूय बाय वत्ताय करी लागलें.

म्हाका समारंभ नाका आसलो.

पयश्यांचो इबाड जाता म्हूण न्हय... बगर एका वेगळ्याच कारणाक लागून.

रोशनाचे ओर्दीचें मीस चलतालें... हांव मार म्हज्याच चिंतनांनी गुल्ल जाल्लों.

म्हजे ओर्दी दिसा साबारांनी म्हाका बरें मागलें. पूण फकत म्हजे व्हडली मांयचीं उतरां आजुनूय उगडास आसात. परत परत तीं उतरां म्हज्या मनांत खेळटालीं.

तिच्या कांपेऱ्या आंगान "पुता तुवें बरो पाद्री जायजे" बेसांव दिवन त्या दिसा मांयन म्हाजा मागलें.

"बरो पाद्र्याब... हा!?" हांव हीं उतरां आटोवन त्याच चिंतनांनी घुसपलों.

म्हज्या भाच्याचें ओर्दीचें मीस अखेर जावन, इगर्जेच्या सालाक वचूंक विगारान समेस्तांक कळयलें.

हांव कोणाय कडे उलयनासतना शीदा सालाक गेलो गेलों. रोशनाक wish करूंक सयत म्हाका अवकास मेळ्ळो ना.

रोशन म्हजे म्हालगडे भयणीचो, जुलीबायेचो तिसरो पूत. बाये उपरांत हांव आनी म्हजे फाटल्यान रॉनी आनी चार्ली, किरें पिंतागेलीं आमी चार नक्तिरां.

... सालांत कार्यें सुरू जालें.

जुलीबायेन एक पावटीं म्हाका पळयलें. तिणें म्हजीं भोगणां वाचलीं दिस्ता. हांव मातसो निराशी आसलों.

पूण मागीर भावोजी सांगाता बाय लोकाक येवकार दिवच्या कामांत बुडली. परत एक पावटीं तिणें सालांत म्हाका पळयलें. अवकास मेळ्ळे तक्षण ती म्हजे लागीं आयली.

"कितें जालें अनिला, हे वरते खुशेच्या दिसा तुजें तोंड बावलें परीं दिस्ता. Is everything okay?" बायेन मायेस्त जावन म्हाका विचारतना मम्मचो उगडास आयलो. तिचेंच रुपणें बायेक आसलें.

"कांय ना बाये... अशेंच... काल रातीक पयण करून आयलां ने... देखून इल्ली पुरासण भोगता... I am okay" बायेच्या भुजाक आफडून तिका हांवें खात्री दिली.

रोशनाक सन्माम कार्ये चलतना लोका संगी चड भरसलो नां. बायेन म्हाका आपल्या घरा एक कूड दिल्लें... जेवण जातच, हांव थंय वचून खटल्यार आड पडलों.

म्हजीं चिंतनां पंचवीस वर्सां फाटीं धांवलीं.

म्हजी ओर्द जातच पयलें वर्स शिकारी पाद्र्याबा संगी म्हजी नेमणूक जाल्ली. शिकारी पाद्र्याब कित्याक काय म्हळयार त्या मिसांव सुवातेर कुरब्यां सांगाता सकाळींचें मीस भेटयिल्ले उपरांत ताणें बंदूक घेवन शिकारेक वच्चें आसले. "अळे अनिला... हांव हे फिर्गजेचो विगार... I am the boss…" हड्डें फुलोवन बंदूक साफ करून तो उलयतालो.

"हांवें सांगिल्लें परीं हांगा रावल्यार, म्हाकाय समाधान तुकाय समाधान" बंदुकांत गुळयो भरून तो म्हणूंक लागलो, हांव थंय आयिल्ल्या दुसऱ्याच दिसा.

"अनिला तुज्या व्हडिलांक विधेय जावन राव पुता..." मम्मान सदांनीत म्हाका सांगचें आसलें. पूण हें कसलें विधेयपण ?

दोन वर्सां भोव कश्टांनी हांवें शिकारी पाद्र्याबा सांगाता रावून दीस काडले. ताका राग हाडयल्यार तेच शिकारी बंदुकेन म्हाका मारीत म्हूण म्हाका थोडे पावटीं भोगतालें.

उपरांत बिस्पान म्हाका शाराक वर्ग दिलो. थंयच्या लोकाक वेळ म्हळयार पयसो. म्हज्या पयल्या दिसा... मीस जाल्लेंच इगर्जेचें आंगण खाली!

"सकडां मॉलांनी आनी हॉटेलांनी नाश्ट्याक गेल्यांत फादर" मिरण म्हाका भुजयलागलो. पूण...

"टि. वीर पळयात... तांचे पास्टर्स कित्यले बरे रितीत प्रिचींग करतात... तांची इंग्लीश तुमी शिकूंक जाय." मागीर आनी इल्लें चडोवन "थोडे पावटीं आयतारा हांवें मिसाक वेळ जाल्यार घरा बसून तांचो शेरमांव आयकुंचो..."

तिचें आयकले उपरांत सदांनीत इंग्लीश चॅनलां पळोवंक हांवें सुरवातलीं... इंग्लीश इंप्रूव करच्या इराद्यान. शेकीं इंग्लीश बरी शिकलों... मात न्युलाइफाक गेल्ले आयडा टिचेरीक परत आमचे इगर्जेक हाडूंक हांव शकलों ना.

गांवांत ल्हान व्हड जाल्या म्हज्या तसल्या गांवकाराक तांणीं चड मोल दिलें ना. म्हाका ग्रामीण वाटारांत वावर करूंक जाय म्हूण हांवें बिस्पा लागीं परातलें.

***

"त्या पिंतागेल्या चेरक्याक तकली समा ना दिस्ता!" हांव आड पडिल्ले कडे एके बायलेचो ताळो कानार सादलो. ती कित्याक अशें (रोशना विशीं) म्हणटाली म्हूण हांव जाणा आसलों.

पस्तीस वर्सां आदीं हांवें पप्पाक म्हजी मुखली आलोचन सांगतना, "पिस्वालाय रे... तकली समा आसा मू?... पाद्री जावंक वेताय खंय... आमची इतली आस्त, शारांत दोन बंगले, लुगटालो वेपार आनी दोन आंगड्यो कोण सांबाळटलो? जुली काजार जालां... चार्ली आनी रॉनी नेणटे... आतां तूंच म्हालगडो आनी तूं पाद्री जाताय म्हणटाय?" पप्पाक म्हजी येवजण पसंद नासली.

मम्मान कशें तरी समजयिल्ले उपरांत म्हाका सिमिनरींत धाडूंक तो कबूल जालो.

खटल्याचे दुसरे कुशीन हांव परतलों.

मोगऱ्यांचो वास म्हज्या नाकाक आपटालो. आसलींच परमळीत चिंतनां म्हजे मतींत उबजलीं.

"जेन्नी" तिचें नांव, जेनिफराचें मोटवें रूप.

म्हज्या मनांत तिचे विशीं भोगणां नासलीं, पूण कॉलेजीक वतना तिचें वर्तन पळोवन हांव मातसो दुबावलों. ल्हानपणा थावन आमी सांगाताच इस्कोलाक वच्चें आसलें. जेन्नी आमच्याच वाड्यांतलें.

म्हजी इश्टागत... तिचे थंय आसचो म्हजो मोग म्हूण तें चिंत्तालें दिस्ता, देखून आमच्या विगारान हांव सिमिनरीक वच्चो आसां म्हूण लोकाक कळयतना जेन्नी म्हाका त्या दिसा थावन दिश्टी पडलें ना.

एक दीस मम्मान फुलां बांदतना मोगऱ्यांचो एक पुंजो हांवें तिका दिल्लो. हासत्या तोंडान ताणें तो स्विकारलो. म्हाका तो गोड उगडास आज उमाळ्ळो.

सिमिनरींत रिगिल्ले उपरांत हांव ताका केन्नाच भेटलों ना. येवच्या म्हयन्यांत तिच्या पुताचें काजार कॅनडा आसा म्हूण जुलीबायेन वॉट्सॅपार कळयिल्लें. तरबेतीचीं वर्सां कशीं पाशार जाल्लीं म्हूण कळ्ळींच नांत.

रोशनाक हांव आनिकूय विश करूंक शकलों ना. खटल्यार आड पडलों मात ती दोनपाराची मोटवी न्हीद पडलीच ना.

***

धा वर्सां काजितोर जाल्ले उपरांत हांव विगार जल्लों. आतां इल्लें खाड मिशयो दवरूंक लागिल्लों.

"आमकां हे पावटीं बरो पाद्र्याब मेळ्ळा... इगर्ज बांदूंक पयशे जमोवंक expert खंय..."

"व्हय, व्हय... बरो पाद्र्याब खंय... इगर्ज बांदले उपरांत आमकां एक हॉल बांदून दिल्यार बरें जायत... आतांचें हॉल पळयतना कोणूय फिर्गजकारा आपलें कार्यें थंय समारंभूंक तयार नांत," म्हज्या मिरणान लोकाच्यो चाडयो सांगतना ताचेंय इल्लें जोडचें आसलें.

म्हज्या फिर्गजकारांच्यो दोनूच विनंत्यो – एक नवी इगर्ज जाय आनी दुसरें काजारां सोभाणां करचे खातीर एक अलंकृत नवें हॉल.

स वर्सां हांव थंय घोळ्ळों, पूण इगर्जेचें पाकें सारकें करचे शिवाय आनी कांयच करूंक शकलों ना. तांच्यो ह्यो गरजो भागोवंच्या बदलाक हांवें काजारी जिवितांत फूट पडिल्ल्या जोड्यां थंय गुमन दिलें.

देखून "आमचो अनील पाद्र्याब कांय फायद्याचो न्हय या..." म्हाका दुसरे कडे वर्ग जातना दोन बायलां मदलें उलोवणें मिरणान म्हज्या कानांत फुंकिल्लें.

"फादर तुमचो शेरमांव तुमी इल्लो मोटवो करूंक जाय... keep it short and sweet." परत एक पावटीं म्हाका शारांत वर्ग मेळिल्लो.

"आमचो पयल्यांचो विगार बरो आसल्लो. पांच मिनुटां भितर शेरमांव काबार करतालो आनी पावणें वरा भितर आयताराचें मीस!"

हा!!.. निजायकी लोकाचो "बरो पाद्र्याब" हांव जावंक शकलों ना... म्हजे आटे विटे देवाकूच कळीत.

तेन्नाच म्हाका हांवें न्हिदिल्ल्या कुडाचें दार थापडिल्ले परीं जालें. पळयतना रोशन. "आंकल... तुवें म्हाका आनिकूय विश करूंक नांय... ब्लेस मी"

"रोशू लोकां खातीर व्हय... पूण देवाक मानवता तसलो बरो पाद्री जा."

भोगणाभरीत काळजान, जड जाल्ल्या मनान... पूण दुबाव नाशिल्ल्या भावार्थान हांवें रोशनाक म्हजो आशिर्वाद दिलो. तकली बागयिल्ल्या रोशनाक म्हज्या दोळ्या थावन देंवचो थेंबो दिसलो ना.

# धा जण

“कितें रे व्हडलो, शारांत शिकून आयला म्हूण हुशारी दाखयता आमकां? आमच्या बुदवंता परस चड बुदवंत म्हूण चिंत्ता तूं आपणाक? आतांच वचून केस फाटीं घाल.... ना जाल्यार धा जणांचो निर्धार तुका म्हारग पडटलो”... म्हाका बोट जोकून दुमगा नायकाची शेंपडी मिंगेल कामती खुबळलो.

मांयन आनी बायेन म्हाका समाधान करूंक प्रयत्न केलो, पूण हांव ओपवलो नां. त्या धा जणांक बूद शिकले बगर हांव रावचो नां... हांवेंय हट धरलें.

***

आयच्या ह्या आधुनीक काळार जेन्ना हुकुमशाही, राजशाही आनी हेर रितीचे राजकीय वेवस्था लोकांनी नाकारून लोकतांत्रीक सिद्धांनाचेर आदारून आपणाकूच हे प्रागामी वेवस्थे खाल घडोवन हाडटना म्हज्याच गांवांत लोकतंत्र कित्याक सुफळ जालें ना? हाका एकूच एक कारण म्हळयार ते, “धा जण.”

गांवचें कारबार चलोवन व्हरूंक कोंकणी लोकांची ही एक खाशेली पुर्विल्ली मांडावळ म्हणूं येता. मात आयच्या ह्या काळार गांवचे समस्ये सुटावे करूंक फकत ह्या “धा जणांचे” बुदवंतकायेचेर आदारून आसचें सारकें गी?

तर कोण हे धा जण?

आदीं मागां कानडी, तुळुवा, मराठा आनी फ्रिंगी रायांचो प्रभाव आमच्या कोंकण भुंयेचेर पडचे आदी – गांवच्या दादल्यां पयकीं धा जणांचो एक आपनेमक पंगड कोंकणांतल्या हरेका गांवांत, गांवचें कारबार चलोवन व्हरताली. ह्या धा जणांच्या मुखेल्याक “बुदवंत” म्हळ्ळो बिरूद गांवकारांनी दिल्लो आनी तशेंच गांवकारांनी ताका उलो करतना सयत “बुदवंतालो...” म्हूण मानान उलो करूंक आसलें. “बुदवंत” जावंक फकत दादल्यांक मात पात्रताय आशिल्ली. एम्. ए. एल्. एल्. बी. पदवी जोडिल्ले आयरीनबायेक सयत आपली बूध दिवंक आडवारिल्लें, त्या बुदवंतांन आनी ताच्या “वांगडा” आसच्या त्या सवाय बुदवंतांनी... उरिल्ल्या णव जणांनी.

थोडे कडे ह्या पंगडाक “वांगड”, आनी ह्या वांगडांत आशिल्ल्या सांद्यांक “वांगडी” म्हूण आपयताले. ही वेवस्था आतां खंयसरूय ना, पूण तांकां संबंद जाल्ली तीं उतरां आजुनूय कोंकणी लोकांचे जिबेर घोळटना आयकूंक मेळटात. देखीक “धा जणां मुखार नांव पाड!”, “वच आनी धा जणांक विचार”, “हा! तो आपणाक बुदवंत म्हूण चिंत्ता” आनी “म्हज्या वांगडा राव”, “ताच्या वांगडा भरसानाका”, इत्यदी.

ब्रिटीशांच्या शेकाखाल आशिल्लो भारत मेकळो जाल्ले उपरांत असल्या साबार प्रदेशीक आनी थळाव्यो चाली रिती बहिश्कृत करून तांचे सुवातेर पंचायती राज भारत सरकारान आसा केलें. देखून सगट नवाब, थळावे राय राणयो आनी हेर रायाळ चाली खाल आडळटें चलयतल्तांनी आपली राज पदवी आनी बिरुदां सांडून, साद्या भारतीय नागरिकां परीं तीं जियेवंक लागलीं.

पूण आमच्या गांवकारांक भारतीय संविधानाची ही मांडणी कित्याक रुचली ना म्हूण देव एकलो जाणा! “आमच्या गांवच्या लोकाचें कारबार आमचेच चाली रिती परमाणें चलोवंक जाय” म्हळ्ळो तांचो हंकारी मनोभाव. मात म्हज्या वाड्याचो लोक हाका आडवाद.

असल्या मत्सरी चिंतपाक सरकारी कारबाऱ्यांक लेगून कांय करूंक जालें ना. आदले पावटीं राज्याचो मुखेल मंत्री ही वेवस्था बदलून हाडूंक परातूंक आयिल्ल्या वेळार त्या धा जणांच्या उतराक पाळो दिवन आमच्या गांवचो सगट लोक काळे बावटे घेवन गांवच्या प्रवेश-दाराशीं उबो राविल्लो खंय.

इगर्जेच्या कामांत जावं, देवस्थानाचे मांडावळींत जावं, हे धा जण आपली दाय घालून आसले. देखून आमच्या गांवच्या दोनूय समुदायाच्या कांय लोकां मदें धा जणां थंय उल्लो राग शिजतालो. खेरितपणीं आमच्या पाद्र्याबाक आनी तांगेल्या मठाधिकारीक त्या धा जणांक पळयल्यार जाय नासलें. “धार्मीक, सांस्कृतीक चाली रितींनी आमी धा जणांनी सांगिल्ले परीं कित्याक चलूंक जाय?” म्हळ्ळें तांचें रजांव.

तशेंच स्त्रियांक आनी चलयांक आपल्या वितर्क सिद्धांता खाल दांबून दवरूंक तांणी जाता तितले नेम कायदे घडोवन हाडिल्ले आनी तांकां कोणेंय विरोध केल्यार “गांव सोडून वचा, आज थावन तुमकां आमी भायर घालतात” असल्या कडक उतरांनी तांणी लोकाक भेश्टावंचें आसलें. तांचे निमतीं आमच्या गांवांत कसलीच उदरगत जाली ना. जायतो लोक कंटाळून, गांच सोडून गेलो आनी हेर गांवांनी तांणी वस्ती केली.

***

दुमगा नायकाक गेल्ल्या जानेरांत गांवकारांनी “बुदवंत” म्हूण पाचारलो. ताचे आनी आमचे मदें जाय नासलें. म्हजो आन आनी म्हजो आजो मोवाळ सभावाचे आशिल्ल्यान तांकां फटोवन आमचो सुमार दोन एक्रे जागो भितर घालून एक व्हडलो पागोर बांदून ताणें आमकां फसयिल्लें.

मंगळूर थावन म्हजें शिकप सोंपोवन येतना म्हाका ही हकिगत बायेन कळयली. हांवें वचून कोर्टींत केस मांडली. दुसऱ्या दिसा ते अन्नाडी धा जण तोणके कुराड घेवन आमच्या दारा मुखार हाजर जाल्ले.

दुमगा नायकाची धूव अलिशा म्हज्याच वर्गांत शिकिल्लें गुणेस्त चेडूं. बापायचे धारुणायेक लागून धावी उपरांत तिचें शिकप मुखारूंक तिका जालें ना. अंयशीं टक्के जोडुनूय आख्खो दीस शेतांत करपतालें.

“धावी उपरांत चेडूं भुरगीं कॉलेजीक गेल्यार मोगार पडटात” म्हळ्ळो एक वितर्कवाद धा जणांनी मांडून हाडून, वीस वर्सां भरल्या आमच्या गांवच्या चलयां थंय अन्याय केल्लो. तांकां फुडलें शिकप करूंक आडवारलें.

त्या धा जणां मदले दुमगा नायक, मिंगेल कामती, दामू परबू खुद्द पांचवी ना पास जाल्ले गिरायक.... हेरांनी कितले शिकूंक जाय म्हूण ते कोण आमकां सांगूंक? आयरीनबाय काजार जावंचे पयलेंच वकिलपणाची पदवी जोडून आयल्यान बचाव!

अलिशा वरवींच कितें तरी करूंक जाता म्हूण हांवें येवजिलें.

अलिशाचो आनी आमच्या मुखल्या लाद्रू पटेलागेल्या म्हालगड्या पुता अश्विना मदें मोग किरलल्लो म्हळ्ळी खबर म्हज्या कानार पडली. अश्विन आनी हांव आप्त मित्र जावनूय अश्विनान म्हाका आपल्या काळजाचे उमाळे सांगले नांत. घडये धा जणांचे भिरांतेन.

"मोगार पडून आमच्या गांवांत कोणेंय लग्नाचो संस्कार जोडूंक नजो" म्हळ्ळो आन्येक वितर्क नेम तांचो... "मोग आनी फोग फकत लग्ना उपरांत."

अलिशा थंय म्हाका बिरमत दिसची आसली. पयले सुवातेर इतलें हुशार आसुनूय उंचलें शिकप शिकूंक तिका त्या अन्नाड्यांनी आडवारिल्लें आनी दुसरे सुवातेर आन्येका वर्सा भितर तिका परिचीत नाशिल्ल्या एका चल्या लागीं काजार करोवंचे आलोचनेर बुदवंत दुमगा नायक आसलो.

गुप्तीं एक दीस हांव अलिशाक भेटलों. करोस्पॉन्डेन्स कॉर्सा विशीं तिका म्हायती दिली. तें ओपवलें.

अलिशान चीत दिवन आपलें शिकप केलें. तिका चडीत गरज आशिल्ले नॉट्स हांवें हाडून दिले. दुमगा नायकाक हाचो वास सयत आयलो ना. तशेंच आमच्या जाग्याची केस झुजूंक हांवें आयरीनबायेक विनयलें.

***

दोन वर्सां रोखडींच धांवलीं. पूण ह्या दोन वर्सां भितर जायती बदलावण जाल्ली.

अलिशा फकत पास जाल्लें मात न्हय, तिका आख्ख्या राज्यांत प्रथम स्थान फावो जालें. हांवें म्हज्या सपनांत सयत अशें अपेक्षूंक ना... दुसरे वाटेन कॉर्टींत आयरीनबायेन मांडिल्लीं रजांवां आमकां फायद्याक पडलीं. आमचो जागो आमकां फाटीं मेळच्यार आसलो. कॉर्टीचें फैसल आयकून दुमगा नायक आकांतलो. हांवेंय फायदो घेतलो....

दुसऱ्या दिसा अलिशाचें रिसल्ट हांवें दुमगा नायकाच्या मुस्कटार मारलें. "पळया बुदवंतांनो, तुमची धूव प्रथम आयल्या आनी तिका राज्याच्या पांवड्यार भांगराचें पदक मुखेल मंत्री हातांतर करतलो... आतां तरी तुमचो हंकार सोडा... पुरो तुमची ती संप्रदायीक आबलेशी रीत" हांवें म्हजीं भोगणां उतरायलीं. दुमगा नायक निशब्द रावलो. म्हजीं उतरां ताका अजीर्ण जालीं.

तशेंच म्हजे फाटल्यान ताका विरोध आशिल्ले सर्व ताच्या घरा हुजीर जमिल्ले. लोकाची लूट पळोवन तो आंकुडलो. कारण आतां काळे बावटे ताच्या मुखार झळकताले.

शेकीं देदेस्पार जावन तो उदगारलो. "आज थावन ह्या गांवांत धा जणांची वेवस्था सासणाक हांव रद्द करतां. जो दुडू आमकां मेळ्ळा तो आमी आमच्या गांवच्या चलयांच्या उंचल्या शिकपा खातीर खर्चितले म्हूण हांव भास दितां."

दुमगा नायकाचो निर्धार आयकून सर्वांनी हुसकार सोडलो. म्हज्या उर्मालार पाक फुल्ले परीं म्हाका भोगलें. त्या दिसाचो सुर्यो अस्तमलो .

दुसऱ्या दिसाच्या उजवाडट्या सुर्या संगी म्हजो गांव नव्या भारताचे चरित्रेंत मेट तेंकून आसलो. धा जणांचें राज सोंपलें आनी पंचायती राज लागू जालें..

# एक दीस, फाटीं

शालिनी म्हजे कडे लग्न जावंक पयलें राजी नासलें. अशें कित्याक म्हूण म्हाकाय पयलें कळ्ळें ना.

आमी सांगाता कॉलेज शिकतना म्हजी आनी शालिनीची वळख जाल्ली. वळख इश्टागतींत बदल्ली आनी थंयच थांबली. तिचे लागीं लग्न जावन तिचे सांगाता संवसार करूंक हांवें केन्नाच चिंतूंक ना.

मागीर एक दीस तिच्या घरचीं लग्नाचो प्रस्ताव घेवन आमच्या दारार पावलीं. भटाक हाडून तखेत्रां जुळयलीं. पूण हे विशीं पप्पा मम्मीन म्हाका एक उतर सयत सांगलें ना.

हाका एक कारण आसलें. हांव एक सडील चालीचो मनीस म्हूण लोक म्हाका दुबावतालो. देखून म्हजी पिराय भरतना म्हाका एकूय सोयरीक आयली ना.

विदेशांत आनी हांगा भारतांत करोडांचो वेपार करचो म्हजो बापूय हें सोंसूंक तयार नासलो. आमचेय जातीची आनी आमच्याच कुळयेची एक चली पळोवन वेगींच म्हजें लग्न करूंक तो चडपडटालो.

संवसारभर सोदून ताका मेळ्ळें शालिनी. शालिनीक म्हजी वळख आसली.... देखून घडये तिका म्हजे संगीं लग्न जावंक खुशी नासली. हेरां भाशेन तिकाय म्हजेर दुबाब आसलो. देखून साबार संगती हांवें तिचे थावन लिपोवंच्यो आसल्यो.

सदां म्हजी दीसपटी (dairy) हांव बरयतालों. आजूय हांवें बरयल्या. पूण तातूंत हांव एक दीस फाटीं पडलां. एक आख्खो दीस म्हजे जिणयेंतलो नाच्च जाला! खंय गेलो तो दीस?

***

... आज मंगळार... हांवें सगळें पॅक करून हांव दोन वरार बेंगळूर वचूंक भायर सरलां... हांवें म्हजे डायरींत बरयलें. दोनांक सुटल्यार रातीक धा वरार पावतां म्हळ्ळो म्हजो अंदाज.

"शालिनी, म्हजें वस्तूर आनी फायल सारकी बॅगांत घाल्या मू?" हांवें तिका आमसोरी ताळ्यान विचारलें. तिचे थावन हांव कसलीच जाप आपेक्षिनासलों. आमच्या लग्ना जिवितांत वादळ तुफान उपराशिल्लें. दोन पावटीं म्हाका डिवोर्साची धमकी लेगून तिणें दिल्ली. दुडू आसुनूय म्हज्या जिवितांत एकसूरपण हांव भोगतालों.

"बरें हांव वेतां तर..." तिका म्हजी फाट वळून हांवें म्हळ्ळे. तिचीं उतरां मोनेलीं.

दनपाराचीं जुस्त दोण जाल्लीं.... हांवें येवजिल्लें परीं.

हार सुरू केलें आनी थंयचो सुटलों. एक धा वीस कि.मी. आरामान गाडी चलयतां चलयतां म्हाका झेम येवंक लागली. हांवें कार थांबयलें... वरां तीन.

दनपाराचो वेळ पूण त्या जाग्यार नर मनीस कोणूच नासलो. मातसो फुडें गेलों. म्हाका एक च्या विकप्याची गुडा आंगड दिसली. म्हज्या न्हिदकुऱ्या दोळ्यांक च्याच वखद. हांवें कार थंयच सामकार हाडून रावयलें. च्यायेचो एक पेलो मागलो. हासत्या तोंडान ताणें म्हाका च्यायेचो एक सळसळो गोबळो दिलो. पूण ताची दिश्ट आजुनूय म्हजेर आसली. गजाल कितें म्हूण म्हाका समजली ना. पयश्यांक रावता म्हूण हांवें लेखलें!

"सायबांनो...." तो म्हजे गाडयेचें नंबर पळोवन म्हाका जाणा आसली भास उलयलो.

"....... हे सोबीत सांजे वेळार तुमी एकलेच भोंवतात....." तो आनी किते गी सांगूंक सोदतालो म्हाका तुरंत गमलें.

हांवें चायेच्या गोबळयांत फुंकून म्हळें, ".... आमच्या वेपाराच्या कामा संदर्भी म्हाका आज रातीं बेंगळूर पावूंक आसा." ताचे दोळे परजळळे.

"आयची रात तुमी एकलीच सारतात गी... छे छे.... तुमकां कितेंय चडुणें जाल्यार?" ताच्या सवालांत बळ आसलें. पूण तशें हांव साबार पावटीं जायत्या जाग्यांनी रातीक पावलां. अशें आसतना भिरांत कसली?

"तुमी म्हजें सवाल समजूंक नात श्रीमान....." ताचे दोळे मिणमिणले. म्हज्या भुजांचेर ताणें हात घालो.

"...... तुमच्या तसल्या तरणाट्याक म्हजे लागीं एक तोफा आसा हुजूर...." ताचे भाशेंतल्यान ताका हांवें पारखिलें. पूण तो कितें सांगूंक सोदतालो म्हूण हांव अजुनूय समजूंक ना.

"मातशें मुखार गेल्यार हांव तुमकां सांगतां," म्हज्या कानांत तो गुणगुणलो.

एक पांच मेटां ताचे सांगाता चल्लों. एके निर्जन सुवातेर रत्याचे देगेर दोन झाडां मदें गुलाबी रंगाची साडी न्हेशिल्ली एक बायल म्हाका दिसली. म्हाका पळोवन ती लजेली. हांव तिका चड पळोवंक वचूंक ना. कित्याक तसलो मनीस हांव न्हय. लोकांची म्हजे विशीं एक चूक समजणी आसली!

म्हाका थंय सोडून तो च्यावालो थंयचो मायाग जालो. ते बायलेक पळोवन हांवें म्हजी फाट वळ्ळी.

"रावा....." तिणें म्हजो हात धरलो. "तुमचे खातीर हांव कितेंय करूंक तयार आसां..... दुडू आपेक्षिनां....

असल्या फासांत हांवें कित्याक पडचे? हांवूय एका बऱ्या घराण्यांतलों. म्हाकाय बायल आसा. पूण मागीर....

"तूं हांगा कितें करताय..... आनी तेंय हे एकसुरे सुवातेर" हांवें तिका विचारलें.

"म्हजी एक लांब कथा सायबांनो..... तुमकां सविस्तार सगट सांगतां.... पूण प्लीज म्हाका ह्या येमकोंडा थावन सुटका दियात...." ती अवचितूच अशें कित्याक उलयता गाय म्हूण हांव चिंतूंक पडलों.

".......त्या च्यावाल्याक एक दोन हजार दियात आनी तुमचे गाडयेंत म्हाका व्हरात... प्लीज."

तिच्या दोळ्यांत दुकांचे दोन थेंबे हांवें देखले. पूण हो ताणें करचो ढोंग जाल्यार?

कितें करचें म्हाका समजलें ना. दोन हजारांचो एक नोट गाडये लागीं उबो आशिल्ल्या च्यावाल्याक हांवें दिलो. तो कांयच उलयलो ना.

"हांव बिजली..... काजापुरकार," उसमोडून ती म्हणाली.... हांव गाडी सुरू करतना.

पयश्यांचें लेख हांव म्हजे दिसपट्टेच्या निमाण्या पानार बरयतालों... एक रुपयाचें लेख लेगून. कितें बरोवं आज..... दोन हजारांची च्या?

"प्लीज गाडयेचीं जनेला बंद करात....." तिची नदर आपल्या हॅन्ड बॅगार आसली. तोंड पुसूंक तुवालो सोदताली ती.

"तूं कोण" हांवें विचारलें तिका... परत एक पावटीं. शालिनी बरीं मोनेली जाप ती दिवची ना म्हूण म्हाका खातरी आसली.

"सायबांनो... म्हाका हॅल्प करा...." बॅगांत तिका तुवालो मेळ्ळो ना.

"हांव त्या च्यावाल्याची भाची.... आमी काजापुरचीं. हांव हांगा काम सोदूंक म्हूण आज सकाळीं आयिल्लीं. मामान म्हाका एका हॉटेलांत व्हेलें आनी म्हजे लागीं आसले पयशे कमिशन म्हूण मागले. नेणत्या परीं हांवें ते ताका दिले...." गाडी चलयतना तिची उतरां हांव चीत दिवन आयकतालों. स वरां जल्लीं, हांव अजुनूय म्हज्या शारा भायर वचूंक नासलों

"मागीर एक दादलो त्या कुडांत आयलो.... म्हजें सर्वस्व लुटूंक तो म्हजेर बळ करिलागलो... पूण हांवें ताका तशें करूंक दिलें ना.... हांव थंय थावन पळून बस स्टॅन्डार आयलीं. म्हज्या मामान म्हाका सोदलो... आनी हांव मेळटच म्हाका थापडायालें..." ताचें हें उलोवणें आयकतना म्हजें काळीज मोंवाळ्ळें.

"तुमी म्हाका बरे गुणेस्त सभावाचे म्हूण भोगले.... देखून तुमचे सांगाता हांव येवंक कबूल जालीं.... म्हजो माम म्हजे कुडीचो दंधो करूंक सदता. म्हाका म्हज्या घरा वचूंक जाय." रडकुरें ताचें मुखामळ गूंड चिंतनांनी घुसपल्लें हांवें देखलें.

"ती तुका शिरकावंक पुणी सोदिना मू!... म्हज्या भितरलो ताळो म्हजे लागीं उलयलो.

"बरें बाय हांव तुका बस स्टॅन्डार सोडटां.... बस येता म्हणसर रावतां आनी मागीर तुजी मुखली वाट तूं पळे......" तिका हांवें भुजयलें.

म्हजी गाडी बस स्टॅन्डार रावोवन थंय आशिल्ल्या कंडक्टरा कडे काजापूर वेच्या बस्सा विशीं विचारलें हांवें. सांजेचीं साडे सात जाल्लीं.

"...काजापूर वेचें बस आज येवचें ना.... आज स्ट्रायक खंय... फाल्यां सकाळीं बारा वरार हांगा थावन बस सुटत," ताणें म्हाका कळयलें.

गाडयेंत म्हजी नदर तिचेर पडली. अर्दें भुकेन आनी अर्दें भियान तिचे न्हिद्रेस्त दोळे खाटयेक लालेताले.

कितें करचें आतां? हॉटेलांत गेल्यार सांगाता रावचें पडत!

हांवें धैरान तशेंच केलें. तिका खटल्यार न्हिदेवन हांव सकला न्हिदलों. गाडी हॉटेला भायर.

पुरासणेन म्हाका रोखडीच न्हीद पडली. हांवें उठ्ठना धा. बिजली अजुनूय न्हिदिल्लें.

तिका उठोवन त्याच हॉटेलांत आमी नाश्टो करून निकळ्ळे. बस येतच तिणें म्हाका वेंग मारली आनी रोखडीच ती बस्सा भितर रिगली.

बारा वरांचें बस पावणें एकाक आयिल्लें. मात दोन मिनुटां भितर काजापुराक सुटलें.

म्हजें जेवण करतना तिच्याच चिंतनांनी हांव घुसपल्लों. म्हज्याच लोकांनी म्हाका सारकें वळखूंक ना, पूण ह्या परक्यान म्हजेर इतलो भरवंसो दवरलो. हें कोणाक सांगचें हांवें? घडयाळ पळयतना दोनपाचीं दोण वरां.

एक आख्खो दीस असोच पाशार जालो आनी हांव अजुनूय बेंगळूर वचूंक सुटूंक ना.

***

बेंगळूर हांव बुदवारा रातीक पावलों... पयण बरें जालें... कसलीच अडचण म्हाका भोगली ना... कोणूय म्हाका मेळ्ळीं नांत.... डायरींत बरोवन म्हच्या पेन्नाचें कवर घालतना म्हजे गाडये भितर पडिल्लो बिजलीचो तुवालो हांवें कचऱ्याचे पेटेंत उडयलो.

# हांव आनी म्हजो व्हडलो भाव

(हिंदी ज्येश्ट लेखक मुनशी प्रेमचंद हाणें बरयिल्ल्या “बडे भाई साहाब” ह्या मूळ हिंदी नाटकाचें भाशांतर)

म्हजो व्हडलो भाव पिरायेन म्हजे परस पांच वर्सां व्हड आनी तीन वर्गां मुखार. म्हजे सांगाता ताणेंय आपलें शिकप सुरवातिल्लें. पूण शिकपा विशीं ताचो आमसोरी मनोभाव नाशिल्ले वरवीं एकाच वर्गांत दोन वर्सां तर कांय पावटीं तीन वर्सां सयत त्याच बांकार बसून ताणें झरयल्यांत.

असलो म्हजो दाट्टू , म्हजो व्हडलो भाव. “अस्कत बुन्यादीचेर एक मजबूत बांदप कशें उबारूं येता?” अशें ताचें तर्क. हाकाच लागून म्हाका आनी ताका ताळ पडनाशिल्लो.

हांव धाकटो तो व्हडलो. म्हाका णव वर्सां भरतना, ताची पिराय चवदा. म्हाका बूद बाळ सांगची, ताचो जल्माधिकार म्हूण तो लेखतालो. आनी तशेंच, हांवेंय ताणें फरमायिल्ल्यो सर्व संगती खालतीकायेन कानून पाळळे परीं पाळूंक जाय म्हळळें ताका जाय आसलें.

सकाळीं थावन सांज पऱ्यांत बूक वाच्च्यांक वेळ खर्चीतालो. थोड्या पावटीं त्या बुकाचे देगेर सुकणीं, सुणीं, माजरां हांचीं पिंतुरां पिंतरावन आपले मतीक समाधानी करतालो. आनी थोडे पावटीं एकूच उतर वा वाक्य धा वीस पावटीं तो बरयतालो. ताणें बरयिल्लेंन समजूंक हांवें निर्फळ प्रयत्न करचें आसलें. तो नव्वे क्लाशीक पावतना, हांव पांचवेक पावलों.

म्हाका बूक वाच्चें म्हळयार जिवार येतालें. बुकां संगीं एक वर सारचें म्हळयार गुडो चडिल्ले परीं. पूण हॉस्टेलाच्या उकत्या मैदानार धांवचें, वाऱ्यार फातर उडोवंचें, आनी कागदाचीं पिसोळीं करून उबोवंक म्हाका भारीं खुशी. ह्या कामांत म्हजे हेर सांगाती मेळळयार मजाच मजा. पूण दाट्टूक पळयलेंच हांव रूख जावन, ताचें सळसळें मुखामळ पळोवन शिदा म्हज्या कुडा भितर रिगतालों.

“खंय गेल्लो?” तेंच सदांचें सवाल घडघड्या ताळयान सदांनीत म्हाका तो विचारी. आनी हांव मोनेल्या उतरांनी ताका जाप दितालों. ताचे मुखार म्हजे जिबेंतल्यान उतरां सुटना जालीं. म्हजें हें मनेपण म्हजे चुकीक रुजवात दिल्ले परीं जालें. हांवूच नेणां, ताका भियेनासतना “भायर गेल्लों” म्हळीं उतरां म्हज्या तोंडातल्यान हांव कित्याक म्हूण भायर काडूंक शकलों ना!

एक दीस...

“हे रितीन इंग्लीश शिकल्यार तुका कांयच मेळचें ना. इंग्लीश शिकचें म्हळयार भुरग्यांचो खेळ म्हूण चिंत्ताय तूं? तुजें रगत पिळून, घाम काडून इंग्लीश शिकल्यार मात इंग्लीश शिकूं येता. संवसारांत अशिल्ल्या जाणाऱ्यांक सयत इंग्लीश भास सुडाळ येना. म्हजीच देख घे, पुनेकेल्ल्या!” आतां ताचें दीर्ग प्रवचन चालू...

“सदां क्रिकेट आनी हॉकी खेळ आस्तात. हांव तांचे थावन पयस रावून, म्हजें ध्यान मन फकत शिकपाचेरूच खंचयतां. आनी इतलें शिकुनूय हांव एकाच वर्गांत दोन तीं तीन वर्सां घश्टो काडीत आसां... तुका कितें जिवीतभर एकेच क्लाशींत रावूंक जाय? पप्पाचे पयशे इबाडच्या बदलाक इस्कोल सोडून कोंयडेबाल खेळूंक वच.” ताचीं हीं उतरां म्हज्या कानार सादतना हांव गळगळो रडलों.

म्हाका बुदी सांगच्यांत दाट्टू व्हडलो फिशली. म्हज्यो खोडी काडून, म्हाका तोपतात तसलीं उतरां वापरून म्हाका ताणें कंगाल करून सोडचें आसलें.

म्हजी चूक कितें? म्हाका ताका जाल्ल्या संगतींनी हांवें कित्याक मेतेर जावचें? हांवें म्हज्या इतल्याकूच चिंतचें आसलें.

***

एक दीस हांवें निर्धार घेतलो... एक वेळावळ (timetable) करूं येता म्हूण. सकाळीं स वरार उठ्ठां.... दांत धासून नाश्टो करतां आनी मागीर लिसांव करूंक बसतां. स थावन आठ पर्यान इंग्लीश, आठ थावन णव गणीत, णव थावन साडे णव म्हणसर इतिहास, मागीर जेवचें आनी इस्कोलाक वेचें. साडे तिनांक इस्कोला थावन फाटीं येवन, इल्लें आराम करून, चार थावन पांच पर्यान भूगोल, पांच थावन स व्याकरण, अर्दे वर हॉस्टेला मुखार पासयो मारून, जेवण करून, आठ थावन णव भाशांतर करतां. मागीर णव थावन धा हिंदी. हेर विशय धा थावन इकरा वरा म्हणसर सोंपोवन न्हिदूंक वेतां. असली म्हजी वेळावळ हांवें मांडून हाडली.

पूण तीं पाचवीचार शेतां भाटां, थंडगार वारें, कबड्डीचो आनी वॉलिबॉलचो खेळ म्हणटना, ती वेळावळ कागदारूच उरली शिवाय, म्हाका ती कार्य रुपार हाडूंक जालें नां. आनी मागीर सदांचे परीं दाट्टूच्या उतरांचो बोवाळ. ताची दिश्ट म्हजेर पडटच म्हाका शेळो घाम सुटलो.

***

वार्शीक परिक्षा सोंपली. दाट्टू नापास. पूण हांव पास जावन क्लाशींत प्रथम आयलों. आतां म्हजे मदें आनी दाट्टू मदें फकत दोन वर्गांचो फरक आसलो. खंडीत जावन घरा येवन दाट्टू सामकें दिवंया म्हूण मन जालें. “आतां खंय गेली तुजी शिस्त आनी पिस्त??? आरे म्हाका पळे, हांसून खेळून हांवें पयलें स्थान आपणायलां.”

पूण दाट्टूक पळयतना हांव करगलों . ताचें तें निर्शेल्लें मुखामळ पळोवन म्हाका ताची काकुळट दिसली. तरी म्हाका एके रितीचो हंकार भोगलो.

आनी हांवें म्हजें खेळचें कार्यें परतून मुखारलें. ताची भिरांत म्हाका आतां नासली.

एक दीस अशेंच कोंयडेबाल खेळून हांव दनपरा जेवणाक पावलों तेन्ना –

“क्लाशींत पयलो आयला म्हूण हंकार नाकाय... रावणा विशीं वाचलां मू तुवें?”, ताचो उपदेश सुरू...

“फकत परिक्षेंत पास जावचें व्हडलें न्हय, तुज्या जिवितांत जाणवाय आटापूंक तुवें वाचूंक जाय. रावणान आख्खे पृथ्वेर धनीपण चलयलें, देखून ताका “चक्रवर्ती” आनी “संवसाराचो राय,” म्हूण ताका वलायलें ... कर्मा ताचीं! आयलेवार ब्रिटिशांचें राज सगळ्यांनी विस्तारलां, तरी आख्ख्या संवसाराचेर राजवट चलोवंक ते शकले नांत. कित्याक जाणाय?” जाप नाशिल्लें दाट्टूचें म्हाका सवाल.

“कारण तांची राजवटकी आपणावंक हेर राष्ट्रां तयार नांत. रावणाक संवसारभर आशिल्ल्या रायांचो पाटिंबो आशिल्लो तें खरें. ताका ते सूंक दिताले खंय. पूण शेकीं कितें जालें ताका?” म्हाका पळोवन परतून तो विचारी. मागीर म्हाका बोट जोकून तो म्हणालो, “ताका उदक दिवंक सयत कोणूय नासलो. हंकार भोव मारेकार म्हूण उगडास दवर... समजलें गी!?”

आनी परत्यान घुंवून... "हंकारान जियेवन पळय आनी खंडीत जावन, तूं सलवतलो, ताचीं तीं जिरगीं उतरां म्हज्या काळजा मनाक लागलीं....आह!

उस्वासाचो एक घोट गेळून परत्यान सुरू... "सैनानाकूय तशेंच जालें. संवसारांत ताचे परस वरतो देवाचो भक्त कोणूय नांत म्हूण तो चिंत्तालो. देखून ताका सर्गा थावन धांवडावन नर्काक धाडलो. रोमाचो पातशाय सयत तशेंच हंकारान फुलिल्लो. तोय गरीब भिकारी जावन मेलो," ताणें दिल्ल्या उधारणांची पट्टी वाडत गेली.

"तुजें नशीब बरें आशिल्लें देखून तूं पास जावंक शकलो. असलें नशीब घडये घडये येना. कोंयडेबाल खेळटनाय तुजें नशीब बरें आसल्यार मात जैत लाभता. पूण तो वरतो खेळगडो जायना... कळ्ळें गी?" दाट्टू म्हाका आणाकी लागलो.

"हांव असोव नापास जालां म्हूण, चिंत्ताय गी तूं? म्हजे क्लाशीक पावतना तुका समजतलें. आल्जेब्रा आनी जॉमेट्री शिकोवंक तुका बांय खोंडची पडत." आतां ताच्या उतरांनी एके तरेची गुंडाय म्हाका भोगली. हांव ताकाच पळयत रावलों.

मागीर अडचून अडचून तो मुखारी लागलो, "त्या इंग्लेंडाचे चरित्रेंत आठ जण हेनरी आसात. तूं कितें चिंत्ताय एका हेनरीच्या जिवितांत घडिल्लें घडीत खंयच्याय हेनरीक थापूं येता? चुकल्यार मार्क कातरतात. तुज्या तसल्याक शुन्य सयत दिवचीं ना तुजी टिचेर. डजनभर जॅम्स, डजनभर विल्यमां आनी इसपा भायर चार्लस म्हणटना तकली फडाफड सुरू जाता... त्या मालदिसांवांक दोन वेगळीं नांवां दवरूंक कितें मार आयिल्ली?... पयलो, दुसरो, तिसरो, चवथो, पांचवो त्याच नांवाक लावंच्या बदलाक. आरे, म्हाका विचारिल्लें जाल्यार हजार नांवां हांव सुचयतलों आसलों," ताचें तोंड तशेंच चिरमुटून तो म्हणालो. म्हज्या सुफळटायेचो ताचे वागणुकेंत कसलोच फरक म्हाका दिसलो नां.

परतून ताची लदीन सुरू....

"जॉमेट्रीच्या विशयांत देवानूच तुका बचाव करूं येता... ABC बरोवंच्या बदलाक ACB बरोवन पळय... कशें कातरतात तुजे अंक. आनी त्या परिक्षकांक ACB आनी ABC मदलो फरक कितें म्हळ्ळें विचारूंक कोणें धैर करूं येता सायबा?.... असल्या चिल्लर संगतींनी इत्य

कित्याक आमचो वेळ इबाडचो?" आनी तेंच मुखार विवरून तो म्हणालो – "आतां दाळ, शीत आनी भाकरी खावच्यांत आनी शीत, दाळ आनी भाकरी खावच्यांत कितें फरक आसा?..." मागीर चिंतेस्त जावन... "तांकां फकत बुकार आशिल्लें सत म्हूण दिस्ता. उतराक उतर बरोवच्याक आनी सगळें तोंडपाट करच्याक शिकप म्हणचें तांणीं...हा!.. एका लायनीर एक लांबकोण रेग (perpendicular) सोडयल्यार ताचें मूळ दोडटें जाता खंय... आतां दोडटें जावं, तिदोडें जावं वा अर्देंच जावं, तातूं तुका आनी म्हाका कितें फरक पडटा? पूण ती दळदीर परिक्षा पास जावंक ह्यो सर्व संगती उगडास दवरच्यो पडटात". तो उबगून म्हाका म्हणालो.

आनी मागीर... "परिक्षे वेळार तुका वेळाची शिस्त (punctuality) ह्या विशयाचेर एक प्रबंध बरोवंक सांगतात"...तो इल्लें हुसकारून म्हणा लागलो. "...चार पानां मिकवनाशें .. तुमचो प्रबंध बरयात. आतां तूं तुजी लेखणी घेवन, तुजी जाणवाय त्या पानांचेर ओत्ताय... आरे! ह्या संवसारांत कोणाक वेळाचो म्हत्व कितें म्हळ्ळें कळीत नां? ताचे वरवीं तुज्याय जिवितांत शिस्त हाडूं येता, लोक तुका मानतात, तुज्या

वेपारांत तुका फायदो जाता, इत्यादी... ह्या सोंप्या गजालीं विशीं चार पानां कशीं म्हूण बरोवचीं? एकाच वाक्यांत सांगची गजाल चार पानां बरोवन बेश्टें तरी वेळ कित्याक पाड करचो? शिकप्यांचेर अत्याचार न्हय गी? आनी ताचे वयल्यान तुवें मोटव्यान बरोवंक जाय खंय, छे!... बरें जालें चार पानां मोटवीं, ना तर शंबर देडशीं पानां बरोवंक सांगतले आसले. वेगीं धांव, मात सवकास! पिशेपणूच सय?" तो हांसलो.

मागीर तांकां केंडून तो म्हणालो..."एका बाळश्याक सयत समजता, पूण त्या शिकोवप्यांक कोणें समजोवचें? आनी वयलान आमी शिक्षकां म्हूण आपणाक पाचारतात...थू..."

"देखून तुका प्रथम स्थान मेळ्ळा म्हूण चड फुगनाका. हांव साबार पावटीं नापास जालां जावंक पुरो, पूण पिरायेन तुजे परस व्हडलो आनी तुजे परस चड अनभोग म्हाका आसा. देखून हांवें सांगिल्लें चीत दिवन आयक, ना तर मागीर तूंच रडटलोय". म्हजीं भुजां सडील करून तो म्हणालो.

इस्कोलाक वेचो वेळ जाल्लो. दाट्टूचो शेरमांव आयकल्ले उपरांत पोटाक आनी खंयची भूक लागची? पास जावन म्हजी ही गत जाल्यार, नापास जाल्लों तर?

दाट्टून सांगिल्ल्या उतरांचो म्हजेर कांय फरक पडलो नां. हांवें म्हजें खेळचें काम, आनी शिकचें काम सांगाताच केलें.

***

अंवदूंची वार्शीक परिक्षा सोंपली. परतून हांव पास जालों आनी दाट्टू नापास.

तशी हांवें चड म्हेनत करूंक नासली, तरी हांव पास जावन परतून प्रथम आयिल्लों. दाट्टू धा वरा म्हणसर रातीक आनी सकाळीं चार वरार उठून, आनी सांजेर स थावन साडे णव वरा म्हणसर लिसांव करी. तरी तो नापास कसो जालो गी? म्हाका ताचे चुरचुरे दिसले.

हांवेंय नापास जावंक जाय आशिल्लें, म्हूण म्हाका भोगलें. ताच्या विलापांत वांटेली जावं येता आसलें. पूण नशिबाचो खेळ हो, कोणें कितें करूं येता? आतां दाट्टू म्हज्यान एकूच वर्ग मुखार आशिल्लो.

एक विकाळ चिंतप म्हज्या मनांत उदेलें – परतून तो नापास जाल्यार, आमी दोगूय एकाच वर्गांत!

मागीर ताणें म्हाका हल्क करून उलोवंक शक्य नां... पूण कोण जाणा? ताणें म्हज्या बरेपणा खातीरूच सांगचें. ताच्या सुचोवण्यांक लागून हांव बऱ्या अंकांनी पास जायन.

दाट्टू हे पावटीं मातसो मोवाळ्ळो. हांवें हाचो बरो फायदो घेतलो. म्हाका आतां पतंग उबोवंची एक नवीच आवड उपजली. तरूय, दाट्टूक मान दिवन, ताची दिश्ट चुकोवन हांवें पतंग उबोवंचें आसलें. पतंग उबोवंच्या स्पर्ध्यांत सयत हांवें गुप्तीं वांटो घेतलो. पूण ताका मान दिनासतना, ताचें मन दुखोवंक म्हाका बिलकूल नाका आसलें

एक दीस मळबार उबचें पतंग पळोवन हांव पिसवल्लों. तें धरूंक म्हज्या सांगात्यां संगीं हांव गेल्लों. मार्गार पाशार जावच्या वाहनांचो आमकां कसलोच हुसको नासलो.

अवचीत हांवें दाट्टूक थंय चोयलें... ताणें म्हजो हात धरलो आनी तो बोबाटलो, "कितें रे, तुका लज मऱ्याद म्हळ्ळी आसा की नां..हां...त्या दोन पयश्यांच्या पतंगा फाटल्यान धांवताय, त्या पारपोळां संगीं. तूं कोण म्हूण जाणा जा, पुनेकेल्ल्या ...एका काळार आठवी पास जाल्ले भुरगे नवाबांचे तहशिलदार आनी सहाय्यक नितीकर्त वा वेवस्थापक, इत्यादी जाताले. आमचे जायते राजकीय मुखेली आनी खबरा

पत्रांचे संपादपी लेगून, आनी तशेंच तांचे खाल काम करतले जाणटे जाणकार सयत तितलेच शिकल्यात...” ताच्या मुखामळार गंभिरताय झळकताली.

“आनी तूं त्या पारपोळ भुरग्यां सांगाता पतंगां धरूंक वेताय? निजायकी पिशेपण हें. म्हाका पळोवन अजाप जाता. तूं बुदवंत आसाय, पूण कितें फायदो तुजे बुदवंतकायेचो? खंय आसा तुजो आत्म सन्मान? तूं चिंत्ताय, हांव फकत एकच वर्ग दाट्टू परस मुखार आसा म्हूण गी? उगडास दवर, म्हज्या सांगाता वा म्हजे परस एक वर्ग मुखार गेल्यारूय, आमचे मदलो हो पांच वर्सांचो फरक तुका काडूंक जावचो नां. हांव तुजे परस पांच वर्सां व्हड आनी हें सत सदांच उरतलें. तुजी MA, D. Phil वा D. Litt. पदवी घेवन, हांवें जोडिल्ल्या अनभोगाशीं तुका तुलन करूंक जावचें नां. पप्पा इस्कोलाक वचूंक नाशिल्लो आनी मम्मान इस्कोलाचें पाखें सयत पळोवंक नां. पुस्तकीय गिन्याना परस, जिविताचे अनभोग चड म्हत्वाचे.

अमेरिकेची राजनीत वा हॅनरी आठवो कितले पावटीं काजार जाल्लो आनी मळबार कितलीं नखेत्रां आसात म्हळ्ळें तीं नेणा आसलीं तरी हेर जायते विशय तांकां कळीत आसले.

हांव पिडेक सांपडल्यार कितें करचें म्हूण तुका कळचें नां, पप्पाक एक टॅलिग्राम धाडचे शिवाय. तुजे सुवातेर पप्पा आसलो जाल्यार, पयलें ती खंयची पिडा म्हूण पळोवन उपचार सुरू करतो... पिडा भोव मारेकार आनी गंभीर संगत... आमचो म्हयन्याचो खर्च कसो करचो म्हूण आमी घुसपडतात आनी पप्पान धाडिल्ले पयशे वीस दिसांनी काबार करून, भिकाऱ्यां परीं उरले दीस काडटात... ताणें आपली जिणी आमी खर्च करचे परस अर्द्या खर्चानून मानान आनी गौरवान जियेवन णव जणांक पोसलां...”

“आमच्या मुखेल मेस्त्रिचेंच उधारण दितां...तो MA शिकला...हांगा थावन न्हय, ऑक्सफर्ड युनिवर्सिटिंत. म्हयन्याक एक हजाराचो पागार, पूण ताचें घर कोण चलयता?” तो म्हाका विचारी. हांव मोनोच उबो रावलों.

मागीर तोच जाप दिवन म्हणालो...“ताची म्हातारी आवय ... पयलें पयलें ताणेंच घर चलोवंचें काम आपणा हातीं घेतिल्लें खंय...पूण ताच्यान तें जालें नां. तो रिणांत सयत बुडलो...पूण आतां पळय ताची अवय घरचें कारबार हाताळटाना, कोणें चिंतूंक जाय लक्ष्मी देवीच ताच्या घरा बिराड करता म्हूण. देखून तुजें तुलन म्हजे सरीं करचें सोड. तुका चुकीच्यो वाटो चमकूंक हांव केदींच सोडचो नां. तूं आयकनाय जाल्यार, हात उबारुंकूय हांव फाटीं सरचो नां. म्हजीं उतरां तुका वीक कशीं दिसतीत!” आज दाट्टूचें इल्लें चड जालें.

आज म्हाका म्हजे ल्हानविकायेचो अनभोग जालो आनी म्हज्या दाट्टू थंय म्हजो स्थान-मान आनिकूय वाडलो. दुकांभरीत दोळ्यांनी हांवें ताका सांगले, “ना बाबा, तुंवें सांगचें सारकें...आनी तशें सांगूंक तुका म्हजेर संपूर्ण अधिकार आसा”.

दाट्टून म्हाका आपले वेंगेंत आरावन धरलें आनी भोगणाभरीत ताळ्यान म्हळें, “तुजी पतंग उबोवंची आशा हांवें आडावंक नाशिल्ली तर, म्हजे जबाबदारे थावन चुकिदार जातों आसलों. म्हाकाय पतंग उबोवंची आशा आसा. पूण कितें करचें? तुका वायट देख दिवंक म्हाका नाका...”

तेन्नाच एक पतंग आमचे तकलेर उबतना आमी देखलें. ताच्या सुताचें पोंत आमच्या दोळ्या मुखारूच हुमकळटालें. भुरग्यांचो एक जमो ताचे फाटल्यान धांवतालो. दाट्टू लांब आशिल्लो. ताणें उडी मारून तें पतंग धरलें आनी हॉस्टेला कडे धांवा लागलो. हांवूय ताचे फाटल्यान धांवलों...

# हेवशीन तेवशीन

हेवशीन जिल्लीबाय, तेवशीन तेज्जाबाय…म्हज्यो उपराळी शेजारनी!

एकाच बापायचीं मात दोगां जणा आवयांचीं भुरगीं, म्हज्या घरच्या उजव्याक आनी दाव्याक वसती करी. सदांनीत दीसरात, हफ्त्याच्या सात दीस, वर्साच्या बाराय म्हयने, तिनशीं साट आनी पांच दीस जाल्यारूय हाड नासल्यो तांच्यो जिबो, तलवारी परीं एकामेकाक फाफसून, आक्रमणां करून, आमच्या शेजारा सामारा अशांती आनी नासमाधानाचें वातावरण तांणीं घडोवन हाडलें.

हांकां प्राचीत रिती, भोगसण्या विधी, विगाराच्यो भेटो, मोगा चिटी, वाड्या जमाती, भोगसणें विशीं दिल्ले प्रसंग आनी प्रवचनां – ह्यो सर्व संगती तांचे मदें समाधान हाडूंक शकल्यो नांत. इतलीं धारूण जावन गेल्लीं तांचीं काळजां. ह्या वयले सगती पैकीं म्हजो पप्पाय एकलो म्हणूं येता. तांचे मदें समाधान हाडूंक साहस केल्लो गिरायक, आज खुद्द समाधानान सासणाची न्हीद न्हिदला.

दोगांयचीं भुरगीं काजार जावन परदेशांत सुशेगाद जियेतालीं. नातरां जावन पणटुरां जल्मलीं तरी तांचे मदलें झूज आजुनूय सोंपलें नां. हाका करणां साबार, निबां हजार. पूण मुखेल कारण म्हळ्यार – मरचे पयलें तांच्या “एकाच” बापायन दोगांकूय आस्तीचे वांटे करून एकल्याक म्हज्या घरचे हेवशीन आनी आन्येकल्याक तेवशीन जागो दिवन, मदलो जागो तसोच अनामीक सोडलो. हें दोगांय भभयण्यांक पुटवलें नां. हाकाच लागून, तो जागो हातासूंक, तांचे मदें तिसरें म्हाझूज सुरवातलें.

त्या पिसांटांक शांत करूंक तो रितो जागो विकतो घेवन फुडें आयिल्लो म्हजो बापूय, तांचो बापूल भाव. पूण ताका बावड्याक कांयच करूंक जालें ना. शेकीं रगताचो प्रॅशर वाडोवन पांच वर्सां आदीं तो मरण पावलो. ह्या संवसाराक आदेवस म्हणचे आदीं पप्पान म्हाका दिल्लो कडक आदेश – “तांचे मदें एकवट हाडले शिवाय काजार जाय नाका पुता!”

“जायत पप्पा” चुरचुरलों हांव ताची अस्वसत कूड म्हजें हातीं घेवन. ताच्याच उगडासान दीसरात कश्टाल्ली म्हजी आवय लेगून आन्येका वर्सा अंतरली.

***

मिनाली आमच्या गांवच्या भलायके केंद्रांतली फिशाली नर्स. हालींच्या दिसांनी तेज्जाबायेगेर तें चडूच पासायो मारतालें. पेंटेंत म्हाका देखतच हातभाशेन हिशारो करून मेळूंक ताणें म्हाका आपयलें. हरशीं जें कितें तेज्जाबाये विशीं सांगूंक आशिल्लें तें सगट तिचे मुखारूच म्हाका सांगतालें. “कांय विशय गंभीर पुणी न्हय मू?” हांव धंडळ्ळों. खंतिस्त जावन मिनालीक भेटूंक गांवच्या भलायके केंद्राक हांव गेलों.

“प्रकाशा…”, म्हाका देखतच उदगारलें तें. “तेज्जाबाये विशीं एक भिरांकूळ संगत तुका सांगूंक आसा!”, तें म्हणालें.

“भिरांकूळ?”, कांपेऱ्या ताळ्यान हांवें विचारलें. “गजाल कितें, मिनाली”, हांवें कंगाल जावन परत सवाल केलें.

“तेज्जाबाय एके अपरूप पिडेक सांपडल्या..ती पिडा तिच्या शिरांनी मारेकार अक्रम करीत आसा…हाका फकत एकूच उपाय – ब्लड ट्रान्सफ्युजन”.

"म्हज्यान निर्धार घेवंक जाय ना बा, तेज्जाबायेचीं सगट सोयरीं परगांवांत आसात...तांकां हांव तक्षण कळीत करतां" घडबडलों हांव.

"ते सारकें, मात तेज्जाबायेचो ब्लड ग्रुपूय एक विशेस नमुनेचो भावा..." "म्हळयार..." घुसपडून हांवें ताका विचारलें.

"AB+, ते पिडे परींच एक आगळें वेगळो ब्लड ग्रूप", मिनाली विवरून. म्हण लागलें.

"हांव तुरतान तिच्या कुटमादारांक कळोवन, खबरा पत्रांचेर कळोवणी घालतां", हांवें ताका सांगलें आनी भलायके केंद्रा थावन हांव घरा परतालों.

घरा पावतच तेज्जाबायेच्या म्हालगड्या पुता, क्लिफीबाबाक वाट्सयेपार हांवें संदेश पाटयलो... सांगाताच म्हजें सूचन. रोखडेंच म्हाका क्लिफीबाबाचें अंतर-राष्ट्रीय कॉल आयलें. "प्रकाशा, तुका बरें दिस्ता तशें कर, पयशे तुज्या बॅंक अकांवटाक धाडटां, दुडवांची परवा करिनाका...दिसेंबर म्हयन्यांत आमी गांवांक येतांव"...ताची भुजोवणेचीं उतरां म्हज्या कानार सादलीं.

हेवशीन जिल्लीबाय कांय नेणा आसलें परीं म्हाका विचारी, "कितें जाले रे, आजकाल तिसलानूच भोंवड्यो काडीत आसाय" आनी मागीर "...हेवशिली म्हातारी जीव आसा गी मेल्या म्हूण इल्ली खबर घे..." केंडून उलयली जिल्लीबाय.

"ना गे जिल्लीबाय...तेज्जाबाये विशीं तूं नेणांय वे?" हांवें तिका विचारलें. "कितें जालें त्या चोट्टया माजराक?" दांत चाबून तिचें तीक सवाल म्हाका. हांव अजापलों.

"...तर तेज्जाबाये विशीं तुका कळीत ना गी? आख्ख्या संवसाराक कळीत आसा.." "पुरो रे म्हज्ये मुखार ताची वकालत करची गरज ना...तुका कितें तिणें आस्तीचो वांटो भासायला गी?" म्हाका कातरून ती उलयली. मुखार उलोवंक म्हाका जालें नां.

***

दुसऱ्या दिसा दिसाळ्यार हांवें दिल्ली कळोवणी पर्गट जाल्ली. तेज्जाबायेचें नांव, विळास आनी म्हजें फोन नंबर तातूं आसलें.

घराची नितळाय करून पेज शिजोवंक दवरतनाच हेवशिले जिल्लिबायेची पिरंगवणी, "अळे रे प्रकाशा!". हांव भायर आयलों.

"त्या चांडाळा विशीं खबर वाचली" तिच्या ताळयांत नंजी हासो हाडून तिणें मुखारलें... "तूं जाणाय प्रकाशा, AB+ एक अपरूप मेळचें रगत...आनी सुभाग्यान, म्हज्या कुडींतूय तेंच रगत व्हाळता".

"कितें म्हणताय जिल्लीबाय!", अमसरी उतरान हांवें म्हळें. म्हाका पात्येवंक मातशे कश्ट मारले.

हांवें रोखडेंच मिनालीक फोनार विचारलें....गजाल खरी!

मागीर पेज जेवन हांव जिल्लीबायेच्या घरा चमकलों. "पळे जिल्लीबाय, देवाचेंच निर्मणें हें...असल्या वगता तुजे भयणीक कुमक करून, तुमचे मदलो उजो थंडावंक" हांवें तिका समजयलें.

"त्या तीन कासांच्या चिल्लर बायलेचे गरजांक पावूंक हांव तयार आसा म्हूण चिंत्ताय गी तूं? बिल्कूल नां. आन्येका जल्मांतूय त्या चांडालाक बूध शिकयले बगर हांव रावचीं नां", सळसळ्ळी जिल्लीबाय. मागीर थोडो वेळ मौन रावून मुखारून ती सांगी लागली, "पूण हां तुजे खातीर म्हजे कडे एक प्रस्ताप आसा.." "प्रस्ताप...आनी म्हाका. तुजो मतलब कितें जिल्लीबाय?", गागेलों हांव.

“चीत दिवन आयक प्रकाशा, तुज्या आनी म्हज्या फायद्या खातीर मांडिल्ली म्हजी येवजण... तुवें आसचो जागो, तुज्या बापायन आमच्या पाय थावन विकतो घेतिल्लो. हांव म्हालगडी आशिल्ले वरवीं, दुबावा वीण तो जागो म्हाका मेळूंक जाय. पूण आमच्या पायन एका गुपीत कारणाक लागून तो जागो तसोच अनामीक सोडलो... तुवें त्या जाग्यार रावूं येता. तुजेंच एक घर बांदूं येता. हातूं म्हाका कसलीच आडखळ नां पुता. मात तो जागो कशेंय करून तुवें म्हज्या नांवार करूंक जाय...हाच्या बदलाक हांव त्या येमकुळयाक म्हजें रगत दिवंक तयार आसां...ताचो जीव तुवें बचाव करूं येता”, म्हाका भुलोवंक ती प्रेतन करी लागली.

“जिवा बदलाक जागो, जाग्या बदलाक जीव” उतरांचीं खेळणी म्हजे मुखार दवरून म्हाका नाडी लागली. जिल्लीबायेचो प्रस्ताप आयकून चिंतनांच्या सागरांत हांव बुडलों. खंतीभरीत जावन हांव म्हज्या घरा आयलों.

फाटीं येतना तेज्जाबायेच्या तोटांत म्हजी दिश्ट चरयली. तेज्जाबाय आबोलीं विंचताली. तेज्जाबायेक म्हजे आनी जिल्लिबाये मदली हकिगत कशी सांगची म्हूण हांवें म्हजे मती भितरूच चिंतलें. हांव तिच्या खळ्यांत गेलों.

हांवें उतर काडचे पयलेंच ती बोबाटली, “आयलोय रे हाजिरी घालून!... मिनालीन काल सांजेर फोन करून म्हजे पिडे विशीं सर्व संगती म्हाका कळयल्यात. पूण भियें नाकाय प्रकाशा, म्हाका आनिकूय धा वीस वर्सां जियेवंक आसात. रगताची विलेवारी करूंक जाय तितलो दुडू हांव दिवंक तयार आसां”.

तेन्नाच हांवें म्हळे, “तेज्जाबाय तुका रगत दिवंक एकली बायल मनीस ओपवल्या , पूण...”.

“पूण कितें रे?” आतुरायेन ती विचारी म्हाका. भिवकुऱ्या ताळयान जिल्लीबायेचें नांव म्हजे जिबेर हांवें हाडलें.

“हाब्बा!” घडघडोच फुटलो. “निकळ हांगा थावन...” तिचें फरमान म्हाका पडलें. “त्या दळदिऱ्या कडचें म्हाका कांयच नाका”, म्हजे फाटीर वागीण जाल्ले तेज्जाबायेचीं तीं रागिश्ट उतरां.

***

दोन म्हयने अशेच पाशार जाले, ब्लड डोनर नासतां... देसेंब्राचो म्हयनो. नातलां फेस्ताची गवज .

दनपाराचें जेवण तेवशीन तेज्जाबायेगेर जाल्यार रातचें जेवण हेवशीन जिल्लीबायेगेर. तेज्जाबायेगेर कॅनडा थावन क्लिफीबाबा, होनी, तांचीं भुरगीं आनी क्लिफीबाबाचीं नेणटुलीं नातरां आयिल्लीं. तशेंच तांच्या घरा सोयऱ्यांची लुटूच लूट. जिल्लीबायेन तेज्जाबायेच्या सोयऱ्या थावन तिचो प्रस्ताप गुपीत दवरूंक म्हाका सांगिल्लें.

“ब्लड डोनर कोणूय मेळ्ळो गी प्रकाशा”, क्लिफीबाबान म्हाका सवाल केलें. हीं उतरां तेज्जाबायेच्या तेजिश्ट कानार कशीं पडलीं गी? देव एकलो जाणा. हें सवाल केल्ले फराच तेज्जाबायेच्या रगताचो व्हाळ चडलो. तिका घुंवळ आयली. तिका धरतां म्हूण वेचे पयलेंच तिणें प्राण सोडून जाल्लो.

“जिल्लीबाय डोनर....” क्लिफीबाबाच्या सवालाक गळगळो रडून, किंद्री ताळयान म्हज्या तोंडांतली जाप सुटली. त्या जाग्या खातीर हांवें देखलें हें तिसरें मरण!

# क्रिस्तीनालो घोव

“फादर तुमी त्या क्रिस्तीनाल्या घोवाक मिसाक येवंक सांगूंक जाय” उसळ्ळो फ्रेंकी शेट वयल्या वाड्याचो भाटकार, हांवें म्हजी मिसाची मुस्तायकी काडून भायर आयिल्ले तक्षण . “आनी ताचे बायलेकूय तुमी सांगूंक जाय”, कुडसिलें शेटाचे घरकारणीन.

गंवळीक परिशदेची बसका हांवें आपयिल्ली. हांव सरळ बसकेक गेलों.

मंगळूर थावन कारवार दियेसेजीक वचूंक म्हाका बिस्पान सुचयिल्लें. थंयचो लोक, थंयची भास, थंयची कोंकणी संस्कृताय आमचे परींच म्हणूं येता, पूण तांकां तांचेंच एक खाशेलेपण आशिल्लें. दोन पावटीं काजितोर जातच, हें म्हाका पयले पावटीं विगार जावन सेवा दिवंक देवान निर्मिल्लें.

मात हांगा कांय कारणांक लागून इगर्जेंत राजकारण चलतालें. आख्खी इगर्ज त्या क्रिस्तीनाल्या घोवा विरोध आसली. कित्याय गाय? गेल्ल्या दोन म्हयने थावन हांव नियाळीत आसां.

बसका सुरू जाली.

जिल्लाबाय खतखत्या ताळ्यान म्हणाली, “फादर तुमी हांगा नवे, तुमकां आमगेले विशय कळीत आसचे ना....पूण तुमी कितें तरी करुंकूच जाय, उपकार करून...” हात जोडून कपेलाक उबारून ती म्हणाली.

तेन्नाच सकयल्या वाड्याचो विजय बोबाटलो, “फादर ताका तुमी हांगाच आपया, इगर्जेच्या आंगणांत...उरिल्लें आमचेर सोडा...” गोमटी सारकी करून भुजां सडील करून तो म्हणालो. “फादर आमी ताका सारकी बूद शिकोवंक जाय....” आनी एक ताळो गर्जालो.

तवळ म्हजी दिश्ट क्रिस्तीनाचेर पडली. आरे! तीय थंयच आसली.

मात ती कांयच उलयली ना. बसके वेळार भासाभाशेक वयर आयिल्लो एकूय विशय – क्रिस्तीनालो घोव.

वणटीर आसल्या घडयाळार इकरा जातना म्यूजीक कानार सादलें.

“जायत” हांवें गंवळीक परिशदेची बसका अखेर करच्याक म्हजी खुशी उकतायली.

उपाद्यक्षान एक मोटवें मागणें शिकयलें, तातूंय क्रिस्तीनाल्या घोवाचो उल्लेख आसलो. खुरसाची कुरू काडटना परत एक पावटीं म्हजी नदर क्रिस्तीनाचेर पडली.

ती कांयच उलयली ना.... कित्याक?

हांव हांगा येवन दोन म्हयने जाल्ले, मात त्या क्रिस्तीनाल्या घोवाचो घूट कितें म्हळ्ळें हांव समजूंक शकलो नां.

***

पवित्र सभेचे नेम कायदे हांव गंभिरतायेन पाळूंक शिकिल्लों. हाकाच लागून म्हजे आदले फिर्गजेचो लोक म्हाका पसंद करिनासलो. पूण हे विशीं हांवें चड गण्णें केलें नां.

जो कोण सर्व नेम कायदे उत्तीमपणीं पाळटा सांबाळटा तो देवाक चड लागीं, म्हळ्ळें म्हजें चिंतप.

लोकांक मेचवूंक गेल्यार देवाक सांडचें पडत!

हरेका इगर्जेंत हांवें राजकारण पळयलां. चड करून दुडवादार लोक पाद्रींक आपल्या बोल्सांक घालचे संदर्भीं. कांय पाद्रींनी हाचो विरोध करून तांकां बरी बूद शिकयल्या. पूण निर्भागान, कांय अस्कत सैमाच्या पाद्रींनी तांकां माथ्यार दवरून जेजूच्या दुबळया धाकट्यां थंय आशिल्ल्या विशेश मोगा विरोध ते साक्स जावंक पावले. हातूं आमचो माजी विगार फादर आल्फी एकलो. ताणें तांकां बरी सळगी दिल्ली.

तांचेच भोळेपणाचो फायदो घेवन हरेके बसके वेळार त्या दुडवादारांचो गलाटो. आनी हेर खंयचोय विशय चर्चेक येवंक ताणी दिलो ना. फ्रेंकी शेटाचें कुटुंब असलो बोबाट घालच्यांत पयलें.

एक दीस हांव शेटागेर जेवंक गेल्लों.

“फादर तुमी कितें पुणी पियेवंक घेतात?” विचारी लागली म्हाका शेटीण, फ्रेंकिची बायल.

“व्हय... एक गोबळो उदक दी बा” म्हजी सरळ जाप तिच्या सवालाक.

“तशें न्हय फादर, हांवें विचारचें तुमकां गरम पिवण्या विशीं....इल्लें ड्रिंक्स घेतात गी?” मंगळुरी बोलयेंत ती म्हाका भुलोवंक पळयताली. फ्रेंकी ग्लास पुस्तालो.

आपल्या जाळांत शिरकावंक जायतो प्रयत्न ताणीं केलो. हांव मात फसवलों ना. ताच्याय घरा क्रिस्तीनाल्या घोवाचो विशय उदेलो, मात हांवें तो थंयच कातरलो.

***

क्रिस्तीनालो घोव कोण म्हूण हांव नेणा आसलों. तीन म्हयने जाले, मात हांवें ताका इगर्जेच्या वाटारांत सयत पळोवंक नां. घर बेज्मेंता वेळार तो ताच्या घरा नासलो. फकत क्रिस्तीन आनी ताचो पूत इनास आसलो. ताची तस्वीर सयत पळोवंक म्हाका तांगेर मेळ्ळी ना. नवेंच काजार जाल्ले आशाची (ताची धूव) तस्वीर वणटीर हुमकळटाली. तर कोण गाय हो क्रिस्तीनालो घोव, ताची गजाल कितें?

दनपारां जेवना हीं चिंतनां म्हजे मती भितर खेळटालीं.

“फादर हांव इनास उलयतां....पप्पाक बरें ना...तुमी घरा येतात गी?” एक तरणाट्या चेड्याचो ताळो तो.

“कोण इनास, खंयच्या वाड्याचो रे तूं...” हांवें तुरंत ताची वळख विचारली.

“फादर हांव, इनास लोब, दुमींग लोबाचो पूत...” हांव इगर्जेच्या साबार राटावळींनी घुसपल्लों, आनी तो उश्ट्याचो हात..... इनास कोण आनी दुमींग कोण म्हाका कळ्ळें ना.

“कोण दुमींग...खंयचो दुमींग मातशें विवरसून सांग पुता.....” हांवें परातलें.

“क्रिस्तीनाची वळख आसा ने तुमकां.....हांव क्रिस्तीन आनी दुमींग लोबाचो पूत, इनास लोब, फादर”. म्हाका एक नमून भोगलें.

“देवा म्हज्या...!कितें जालां पप्पाक?” हांव सगळोच आकांतलों.

आज पयले पावटीं क्रिस्तीनाल्या घोवाक मेळूंक म्हाका अवकास मेळटा, पूण असले वायट परिगतींत.

“मिरणाक घेवन हांव आत्तां आयलों...” हांवें ताका भुजोवन खात्री दिली. हात धुवन, लोब न्हेसून हांव मिरणाक घेवन बायकार निकळ्ळों.

बहुशा ताच्या घरा भायर व्हडलो जमो आसतलो म्हूण हांवें चिंतलें. पूण थंय क्रिस्तीन आनी एका तरणाट्या चेड्या शिवाय आनी कोणूय नासलो. तो तरणाटो चेडो इनास म्हूण म्हाका घरा रिगतना कळ्ळें.

“येया फादर....” हात जोडून इनासान म्हाका घरा येवकार दिलो. म्हजी दिश्ट मात दुमगाचेर आसली. ताकाच पळोवंक हांव आशेतालों. ताचे विशीं म्हाका जाणा जावंक एक आतुराय आसली.

खटल्यार आड पडिल्ल्या दुमगा सरशीं हांव गेलों.

“दुमगा...हांव तुमचो विगार....फादर विक्टर....तुका पळोवंक हांव अत्रेगतालों. जायत्या जणांनी तुजे विशीं म्हाका साबार संगती सांगल्यात.”

“हा!...” दुमगान सुस्कार सोडलो. “म्हजे विशीं तांणीं कितें सांगचें”, तो बसूंक प्रेतन करी लागलो.

“....पूण दुमगा तूं मिसाक कित्याक येनाय?” हांवें रोखडेंच ताका विचारलें.

विनम्र जावन ताणें म्हाका ताची कथा सांगली.

“फादर दोन वर्सां आदीं आल्फी फादर आसतना हांव म्हज्या वाड्याचो गुरकार जावन आसलों. खळमीत नासतना हांवें सेवा दिल्या फादर....” ताच्या मुखामळार एके रितीची गंभिरताय झळकताली. ताणें उचारचें सतूच म्हूण हांव पात्येलों.

“हांव गुरकार आसतना म्हाका म्हजे धुवे, आशाक सोयरीक आयली. म्हज्या संतोसाक गड नासली. हांवें म्हजे घरकारणीक कळयलें. चेडो फ्रेंकी शेटाच्या सोयऱ्यां पैकीं. आमगेलोच म्हूण चिंतून आशानूय व्हयकार दिलो. पूण ताणें आमकां फटयलें फादर...” ताच्या दोळयांतल्यान दुकांच्यो झरी फुटल्यो.

“...कितें जालें दुमगा?” हांवें मायेस्त जावन विचारलें.

“...तो चेडो काजारी आसलो. आमकां ही खबर कळटच आमी करार मोडलें. आनी एका दुसऱ्या चेड्या लागीं तिचें काजार करयलें. हें फ्रेंकी शेटाक पसंद जालें ना. तो आमचेर चाळवलो.

आमच्या घरा येवन आमकां धमकी दिवन गेलो. अमचेच क्रिस्ती समाजाचें नांव कित्याक घाणोवचें? हाचे विशीं हांवें कोणाकूय कांय सांगलें ना. आल्फी पाद्र्याबाबाक ही गजाल कळयतना “आपूण पळयतां” म्हणालो...”

“फादर... त्याच आयतारा गंवळीक परिशदेची बसका जमली. बसकेचे सुरवातेकूच म्हाका विगाराचो आदेश – श्रीमान दुमींग लोबो, तूं एक इगर्जेचो फुडारी जावन तुवें तुज्या भावाचेर पयशांचे आशेक लागून फटकिरो आरोप घालाय....तुका ह्या फुडें आमचे सभेंत रीग ना..” हें आयकून हांव अजापलों. म्हजी झींट उडली.

तशें जाल्यार जावं सायबा.... आनी मुखार हांव खंयच्याय धार्मीक कार्यांनी मेतेर जाय नां म्हळें हांवें. आनी त्या दिसा थावन हांवें इगर्जे भितर मेट दवरलें ना. म्हाका भोगशिया फादर म्हाका हाची दूख भोगता....पूण कितें करूं येता आसलें हांवें... दुडवाच्या बळार सताक फाट करूंक शकल्लो फ्रेंकी?”

ताच्या सवालाक म्हजे कडे जाप नासली.

दुमगाचेर म्हाका राग आसलो, तो मिसाक येनासलो म्हूण. पूण आतां ताका फसयलां म्हूण कळ्ळें म्हाका.

हा! कसली संगत ही? इगर्जेक येवपी फ्रेंकी शेट मोसगार आनी इगर्ज सोडिल्लो क्रिस्तीनालो घोव, निजायकी क्रिस्ताचो खरो साक्स जावंक पावलो. आपले कश्ट ताणें मौनपणीं सोंसले.

हांवें दुमगाची नीत केल्ल्याक म्हाकाच कुमसाराची गरज आसली.

# मोनीं भोगणां

म्हजे कुशीक आशिल्ली रिती बसका पळोवन ती आमसरान थंयसर बसली. बशिल्लेंच तिणें आपले केंस पोशेले आनी हाताच्यो निट्ट्यो काडीत मोबायलाचीं बटनां दांबून तें सायलेंट मोडार दवरलें. तिचो लोळटो दुपट्टा धरणीची धूळ चाकून म्हेळटालो. पूण ताची तिका कसलीच परवा नाशिल्ली.

क्रिस्तांव दात्तेरांक परिसंवाद आसा केल्लो बिस्प सायब आनी पाद्र्याब त्याच वगता थंयसर येवन पावले. सर्वांची नदर त्या मानेस्तांचेर आसतना, म्हजी मात म्हजे कुशीन बशिल्ले ते चलयेचेर खंचली. गंवा वर्णाची कात, लांब भांगराळे केंस, आकर्शक मुखामळ, लांबडी बोटां, तांचेर नेल पॉलिशाचो सुरंगार आनी उजव्या हातार पिंतरायिल्लो खुरीस म्हजे एकेच नदरे भितर हांवें जिखून धरली. एका दात्तेराक सूक्ष्म नदर भोव गरजेची!

सुमार दोन वर्सां थावन आमचो विगार म्हाका ह्या परिसंवादांत वांटेली जावंक पराथून आसलो. पूण म्हज्या थोड्या वैयक्तीक कारणांक लागून हांवें तांचो हो प्रस्ताप सिवकार केलो ना. तरी हे पावटीं पाप सायबान काकुळटीच्या वर्सा निमतीं पवित्र सभेचे शिकवणेंत जायतें नवेपण हाडलां म्हूण साबार सांगाती क्रिस्तांव दात्तेरांनी म्हणटना हांवें आयकल्लें. हातूं कितलें सत आसा काय म्हूण पळोंवच्या इराद्यान हांव ह्या परिसंवादाक पावलों.

खरें म्हळ्यार पवित्र सभेचे थोडे कायदे आनी नियमां म्हाका मानवनासलीं. गर्भपात, दया मरण आनी असल्याच थोड्या समस्यां विशीं म्हजो एक उदार मनावादी (liberal) आनी प्रगामी (progressive) अभिपराय आसलो. म्हज्या सांगात्यांक हांवें हाचे विशीं सांगतना तांणीय म्हाका लागीं केलो ना. म्हजीं बरपां सयत क्रिस्तांव पत्रकार आनी संपादक प्रगट करूंक कबूल नासले.

“एक क्रिस्तांव जावन पवित्र सभे विरोध वीख शिंपताय गी तूं....लज दिसना गी तुका” तांची म्हाका प्रतिक्रिया.

तांचे सांगाता भरसनासतां हांव म्हज्याच सिद्धांता परमाणें म्हजें जिवीत जियेतालों. मीस, मागणें रजार मात हांवें सोडलें ना.

म्हजे जिणयेंत हांव एकसुरो जाल्लों. म्हज्या ह्या अभिपराया निमतीं खंयचोय क्रिस्तांव बापूय आपले धुवेचो हात म्हाका दिवंक राजी नाशिल्लो. म्हाका चाळीस वर्सां जाल्लीं तरी हांव काजार जावंक पावलो ना.

हो म्हजो हंकार म्हूण चिंतिनाकात. एक दात्तेर जाल्ल्यान पवित्र सभेच्या असल्या नियमांक लागून साबार जण इगर्ज सोडून गेल्ले हांवें पळयलां आनी थोडे कपटी जण सभे मुखार एक आनी आपल्या खासगी जिवितांत दुसरेंच रुपणें घालून भोंवतले, हांवें देखलां. हातूं आमचे आसपत्रेचो डीन एकलो.

“आमची ही आसपत्र क्रिस्तांवांची आसपत्र. देखून हांगा जीव काडूंक कोणाकूच अधिकार ना” म्हणचो गिरायक पयर सरकारी आसपत्रेक वचून आपल्या घराण्याची लज राखूंक आपले धुवेच्या गर्भपाता खातीर अर्जी घालून आयिल्लो.

***

“जिवीत देवाचें आमोलीक देणें, ताची जतन कर” परिसंवादाचो हो विशय दाट अक्षरांनी येवकार पत्राचेर बरयिल्लो हांवें वाचलो. विशय म्हाका पसंद जालो. हांव ओपवलों आनी मुंबय पावलों.

पूण राष्ट्रीय पांवड्यार मांडून हाडिल्ल्या ह्या परिसंवादाक म्हजे दियेसेजिंतलो हांव एकलो मात. थंयसर आसलो सगळो लोक म्हाका परको.

जुस्त णव वरार सर्वांक येवकार मागले उपरांत पयलें उलोवप सुरू जालें. ह्या उलोवपांत एका क्रिस्तांव दात्तेराण पवित्र सभेचे शिकवणे विशीं माहेत दिवन, आमच्या आयच्या आधुनीक काळांत उबजल्ल्या समस्या विशीं नियाळ केलो. पूण ह्या सर्व संगती विशीं म्हजें मन आकर्शीत जालें ना. परत परत म्हजी दिश्ट म्हजे बगलेन बशिल्ले ते चलयेचेर वेताली. हांवूच नेणा, अशें कित्याक म्हूण. मोगार पडची ही म्हजी पिराय न्हय.

फळार करूंक आमकां विराम मेळटना तिचे लागीं हांव उलयतलों म्हळ्ळो हांवें म्हजे भितरूच भाशणां आनी प्रदर्शनां जातना निर्धार केलो. पयल्या प्रदर्शना उपरांत आनी दोन प्रदर्शनां जालीं आनी मागीर चायेक वचूंक आयोजकांनी विराम दिलो.

म्हजें फायल बंद करून पॅन बोल्सांत घालता पऱ्यांत ती मायाक जाल्ली. हांव मातसो निरासलों. चायेच्या कांवटरार तिका पळयले परीं जालें. पूण लोकां हुजीर तिचे कडे उलोवंक हांव भिजुडलों. विराम सोंपलो.

सालांत दुसरी सत्र सुरू करूंक उलोवप्यांची तयारी चलताली. हांव म्हजे बसकेर आसलों, ती खंयसरूय दिसनासली. पूण मागीर साला भायर गंभिरतायेन मोबायलार उलयताना हांवें तिका चोयलें. बॅल जाली, ती सालांत रिगली. हांवें म्हजे दोळे वाटारून तिका पळयलें तरी, तिणें कांय गण्णें केलें ना. म्हजीं भोगणां तिका समजलीं नांत. हांव अदृश्य जालां गी? म्हजोय हंकार चडलो.

उलोवपां जातना जेवणा वेळार कशें पुणी तिचे मुखार वचून बशी दितां म्हूण हांव सपनेतालों. पूण कसलें फुटकर नशीब म्हजें... तिचें घर थंयच जाल्ल्यान ती तिच्या घरा जेवणाक गेल्ली. म्हजे काळजाचे अत्रेग तशेच उरले.

म्हाका पळोवन थोडे पाद्री म्हजे कडे उलोवंक आयले. म्हज्या वावरा विशीं तांणी विचारलें. तांणी तांचो अभिप्राय उचारतना हांवेंय म्हजो अभिप्राय सांगलो. जायत्यांक तो रुचलो ना. मात असल्या गंभीर विशयां मदेंय ते चलयेचें रुपणें परत परत म्हज्या दोळयां मुखार झळकतालें. तिची ती सोबाय, ती सुरुपाय हांव विसरूंक शकलों नां. कशें पुणी तिचे लागीं संपर्क करुंकूच जाय.

देड दिसांचो हो परिसंवाद. अर्दो दीस सोंपलो.

सांजेच्या प्रदर्शनाक हांव राकून आसलों. पूण सांजेर ती आयली ना.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं तिचे लागीं उलोवंक म्हाका संदर्भ मेळ्ळया वेळारूच मांयचें कॉल. हांवें फोनार उलयतना तिची नदर म्हजेर पडली. बहुशा म्हजी भास तिका कळीत आसली. तिका पळोवन हांवें म्हजें मुसकट फुलयलें. मांयचें उलोवणें जाता म्हणसर उलोवपी माचयेर पावलो. आमकां उलोवंक अवकास मेळ्ळो ना.

हांव म्हज्या इतल्याकूच चिंतूंक पडलों. इतलो धैरादीक मनीस हांव, आनी हे चलये लागीं उलोवंक इतलो कावजेतां कित्याक? ती वीस पंचविसाची आसले परीं दिस्ताली आनी म्हाका भरती चाळीस वर्सां. उण्यार इश्टागत पुणी जोडूं येता...मोगाक आनी इश्टागतीक पिरायेची गड आसा व्हय?

परिसंवादाचें निमाणें उलोवप जालें. तिचें नांव I-Cardआर हांवें पळयलें.

आयोजकांनी उपकार बावुडटना ती थंय नासली. म्हाका एक बरी येवजण सुचली. तिचें नांव मनांत दवरून हांव नोंदणी करच्या मेजार गेलों. तिचो विलास बरोवन घेतलो. तीय एक नर्स म्हूण म्हाका कळीत जालें. नांव संगीता, गांव मुंबय.

हांव म्हज्या गांवांक परतलों.

***

चार हफ्ते ...लगबग एक म्हयनो पाशार जालो...

पूण तिचें तें मुखामळ हांव विसरलों ना. त्याच पत्त्यार तिका भेटुंया म्हूण म्हाका भोगलें. हांवें फ्लायट बूक केली आनी त्याच दनपारां हांव मुंबय पावलों.

संगीताच्या दारार मारतना एक म्हातारी स्त्री आयली आनी तिणें दार उगडलें. “हांव संगीताचो इश्ट...तिचे वळखीचो, तिचे खातीर एक बरो कामाचो प्रस्ताप हांवें हाडला”, म्हज्या तोंडांतल्यान आपशींच उतरां सुटलीं. घराच्या हुंबरार रावून म्हजे दोळे तिकाच भितर सोदताले.

भायल्या कुडाचे वणटीर आशिल्ले एके तस्विरेचेर म्हजी दिश्ट पडली. तस्वीर संगीताची. तस्विरेंत ती आनीकूय सोबीत दिस्ताली.

ते म्हातारेन म्हाका भितर आपयलें. “संगीता...” तिचे जिबेर तिणें तें नांव उचारतना म्हाका एक वेगळोच अनभोग जालो. हांव तिका भेटूंक आतुरलों.

पूण ते म्हातारेचो जिनस वेगळोच आसलो. रडकुऱ्या ताळयान तिचे आजयेन म्हाका तिच्या जीवघाताची खबर सांगली. म्हाका गडगडो जगलाणें फुटिल्ले परीं भोगलें.

एका म्हयने आदीं म्हळयार.... परिसंवाच्या दुसऱ्या दिसाच तिणें जीवघात केल्लो.

“एका दात्तेराच्या मोगार ती पडिल्ली. ताणें तिच्या मासूमपणाचो फायदो घेतलो. दोन म्हयन्या उपरांत आपूण गर्भेस्त आसां म्हूण तिका कळटच तिणें ताका कळयलें. तो काजाराक ओपवलो ना”, ती वोद्दाडली .

म्हजीं मोनीं भोगणां हांवें उचारिल्लीं जाल्यार आज तिचो जीव वांचतो. दुसऱ्या दिसाच्या फ्लायटार हांव गांवांक परतलों.

पवित्र सभेच्या दोन हजार वर्सांच्या अनभोगा मुखार म्हजो वीस वर्सांचो अनभोग फाटीं पडिल्लो म्हूण म्हाका भोगलें.

# मोरभाटांतले मोर आनी चोर

कोंकण वाठारांतल्या मोरभाटांत घडिल्ली ही गजाल.

तवळ फिंरग्यांचो प्रभाव कोंकण भुंयचेर नाशिल्लो. मोरभाट आख्ख्या कोंकणांतूच न्हय, बगर संवसारभर फामाद आशिल्लो गांव. हाका दोन कारणां आसूं येत. पयलें थंय आसचे मोर, जाका लागून ह्या गांवाक हें नांव लाभलें आनी दुसरें विचारशात जाल्यार – थंयची श्रेश्ट राणी कनिश्काबाय वरती. कोंकण वाठारांत कोंकणी रायांचो शेक आशिल्लो. आदित्यराय हांगाचें राजकारबार चलोवन आशिल्लो. तो भोवशा कोंकण मौर्यांचे कोंकणी कुळयेचो, कारण ताचें आल्कुंज मोरें आशिल्लें.

मोरांचो हो सोबीत गांव जाल्ल्यान सकडांची दिश्ट ह्या गांवचेर आशिल्ली. अरबी दऱ्याच्या बंदरांनी कारखाने उबारिल्ल्या फिंरगी वेपाऱ्यांचे दोळे आबळेसान ह्या गांवाक पळोवन आशिल्ले. मोरभाटाक आसचे तीन वांटे - वयलो वाडो, सकयलो वाडो आनी मदलो वाडो. मदल्या वाड्याचो धनी दामोदरबाब नायक उर्फ दामबाब. दामबाब आदित्यरायाच्या राजमंडळांत आसल्यारूय ताच्या आनी रायाच्या संबंदांत फूट पडिल्ली. एकामेकाक ते उज्याच्या दोळ्यांनी देखाताले. पूण सकयल्या वाड्याचो गायणेश, उर्फ गायणू मात आदित्यरायाचो खास मित्र जावन आशिल्लो. गायणू वागांचे शिकारेंत निपूण जाल्लो. देखून आदित्यराय केन्ना केन्ना ताचो उगडास काडटालो. फिंरगी वेपारी मानुवेल द कूज्र आदित्यरायाच्या रावळेरा लागीं आपलो एक कारखानो उबारचे येवजणेर आशिल्लो. पूण ही ताची फकत एक चाल जावन आशिल्ली. कारखानो उबारून आदित्यरायाची राजवट हातासून, ती आपणान काबीज करची ताची गुप्त येवजण आशिल्ली. आदित्यराय ताची ही चाल समजून ताका आपल्या राज्यांत रीग दिनासलो. आदित्यरायाचे हे करणेन रागाभरीत फिंरगी वेपारी आपले सेना सांगाता आदित्यरायाचेर परत्यान परत्यान आक्रमण करीत रावले. पूण मोरभाट आपल्या ताब्यांत करचे तांचे येवजणेंत ते निर्फळ जाल्ले. निर्फळ जरी ते जाल्ले, निरास मात ते जाले नात. तांचो दबाव ते आदित्यरायाचेर घालनूच आसले.

थंय फिंरग्यांचें आक्रमण जाल्यार, हांगा मोरभाटांत गायणू आनी काणशा नायकाचें मोगाचें प्रकरण. काणशा नायक कोण गाय म्हण विचारशात! व्हय! दामबाबाली धूव. ताच्या मोगाची आनी अपुरबायेची एकलीच एक चली. गुणांनी गुणेस्त आनी रुपान रुपेस्त. सदांच हासत्या तोंडाचें आनी गोड उतरांचें. असले चलयेक वागाचो शिकार करपी गायणू खुद्द ताच्या मोगाक शिकार जाल्लो. गायणू ताच्या मोगांत

सळसळ्ळ्यारूय काणशाक ताची ऊब लेगून मारली ना. सकयल्या वाड्या थावन मदल्या वाड्याक शिकार करूंक येतना मात, गायणू चोऱ्यां नदरेन काणशाक पळोवन आपले दोळे भरतालो. एक दीस ताका आपल्या घराची धनीण करची म्हळ्ळो ताचो निर्मळ विचार आशिल्लो.

आदित्यराय आनी दामबाबाच्या संबंदांत फूट पडचें कारणूय हेंच काणशा. एक पतीण आसुनूय काणशाक आपली घरकान्न करूंक ताणें दामबाबा मुखार आपले पर्जे हुजरीं राजमंडळाची बसका चलतना हो प्रस्ताव घाल्लो. आदित्यरायान काणशाचे चुरुकाये आनी जाणवाये विशीं साबार गजाली आयकल्ल्यो. राज्याच्या राजकारणांत असले बुदवंत स्त्रियेची गरज एक अमानतूच सय. पूण आदित्यराय, आपलो मित्र गायणूय तेच चलयेच्या मोगार आशिल्लो म्हण नेणा आसलो. दामबाबाक दिसलें की, जर म्हजी धूव ह्या रायाची दुसरी बायल जायत जाल्यार, ताका राजकारणांत आनी तशेंच राजघराण्यांतूय दुसरो दरजो मेळत. ह्याच भियान ताणें हो प्रस्ताव खालतेपणीं नाकारलो. आदित्यरायाक मात, हें नाकारपण स्विकार करूंक कश्ट मारले. ताणें दामबाबाक एका वर्साची आवधी दिवन म्हळें, "जर तूं तुजे धुवेचो हात, हांवें तुका दिल्ल्या एका वर्सा भितर म्हज्या हातांत दिनाय जाल्यार, हांव तुजे धुवेक अपहरण करून, म्हज्या ह्या रावळेरांत एक चाकन्न म्हण दवरतलों". रायाची ही धमकी आयकून दामबाबानूय निचेव केलो, "आनी मुखार त्या आबळेशी आदित्याच्या राजमंडळांत जांव, राजकारबारांत जांव, हांव वांटो घेवचो ना आनी ह्या एका वर्साचे आवधे नंतर आदित्यरायाक शिंवासना वयलो उडोवन आख्ख्या कोंकणाचेर राज चलोवन ताका बूद शिकयतलों." आपलो राजिनामो दिवन तो आदित्यरायाच्या राजम्हाला थावन भायर निकळ्ळो. तांचे मदें पेटिल्ल्या ह्या किजिलाची खबर फिंरगी वेपारी मानुवेल द कूजच्या कानार सादली. मानुवेल असल्याच एका संदर्भाक रावून आसलो. दामबाबा लागीं हात मेळोवन मोरभाटाचेर आपलो अधिकार चलोवन, त्याच दामबाबा सांगाता आदित्यरायाचेर झूज मांडून आख्खें कोंकण आपले पदवे खाल करचो ताचोय हंकारी इरादो आशिल्लो.

मानुवेल आपल्या थोड्या सैनिकांक घेवन मोरभाटाच्या मदल्या वाड्यांत दामबाबाक मेळूंक म्हण आयलो. बऱ्यांतलें बरें वस्तूर, वायन आनी हेर मोलादीक वस्तू दिवन ताणें दामबाबाक फटयलें. दामबाबान आपणाची आनी आदित्यरायाची हकीकत मानुवेलाक कळयली. मानुवेलाच्या मनांत कितें शिजता म्हण दामबाब नेणा आसलो. दामबाबान काणशाचें लग्न गायणु कडे थारायलें. गायणूय कांय फाटीं मुखार चिंतिनासतना दामबाबाक आपली कबलात दिता आनी आपल्या मोगाच्या काणशा लागीं लग्न जालो. मानुवेल थोड्या फिंरगी आनी गांवच्या लोकांक एकठांय करून एक सैन्य तयार करून, सेनापती जालो.

जेन्ना आदित्यरायाक ही खबर पावली तेन्ना ताणें गायणुकडचो आपले इश्टागतीचो संबंद निरबंदीत केलो आनी आपल्या राज्यांत एक फरमान जारी केलें, "...ह्या फुडां, दामबाब, दामबाबाची चली, दामबाबाचो जांवय आनी दामबाबाचें आख्खें घराणें फितुरेगार म्हण हांव पाचारतां आनी असल्या दगलबाज्यांक आमच्या राज्यांत कसलीच सुवात ना. देखून हांव, कोंकण अधिपती भौश्रेश्ट आदित्यराय मोरे घोशण करतां की, मोरभाटाचेर धनीपण चलोवच्या ह्या दामबाबाचेर फाल्यां सुऱ्यो उदेतना, पयल्या पारार आमी आक्रमण करतल्यांव..." दामबाबाक हें फरमान आयकतच शेळो घाम सुटलो. ताणें आदित्यराया थावन असली अपेक्षा करूंक नाशिल्ली. "खंय त्या रायाचीं हजारों लस्करां आनी म्हज्या

मोरभाटाचे वीस पंचवीस जण शेतकामती दादले...” ताणें आपणा इतल्याकूच चिंतन केलें. तेच वेळीं ताका आपल्या फिंरगी मित्र मानुवेलाचो आठव मारलो. ताचो उगडास काडिना फुडें, सेनापती मानुवेल आपल्या घोड्यार सवार जावन दामबाबाच्या घरा मुखार हाजीर जालो. आपल्या दोळयांनी दुकां गळोवन तो मानुवेलाक सांगी लागलो, “कसलो निश्टूर म्हजो राय. ज्या रायांक हांवें आनी म्हज्या पुर्वजांनी खळमीत नासतना सेवा दिल्या, तोच राय आज म्हाका आनी म्हज्या कुटुंबाक जिवेशीं मारूंक सोदता.” ताका भुजोवन मानुवेल म्हणालो, “दामबाब आनी पुरो. ह्या आदित्यरायाचें असलें कर्तूब म्हज्यान आनी मुखार सोंसूंक जायना. ताका आमी बूद शिकोवंक जाय. हांव म्हज्या सोजेरांक, शस्त्रां आनी आर्मां घेवन आज रातिकूच मोरभाटाक येतां. तांणी आक्रमण करचे पयलें आमी तांचेर आमचे कडे आशिल्ल्या आधुनीक शस्त्रांचो प्रयोग करून हल्लो करुंया.” दामबाब ओपवलो . ताणें काणशाक घडिल्लो वृत्तांत सांगलो. काणशान आपल्या पतीक ही खबर दिली. गायणून मोरभाटांत आशिल्ल्या दादल्यांक जमो करून रानाचे वाटेन, ताणें पोसके केल्ले धा बारा वाग घेवन, मोरभाटाच्या दारवट्यार, फाटले कुशीन पावलो. आन्येके वाटेन, उदका मार्गार मानुवेलाचे फिंरगी सैनीक बंदूक, उज्यागुळे, तोप, खजनां आनी हेर हातेरां घेवन तारवार उबे जाले.

दुसऱ्या दिसा आदित्यरायान फरमायिल्ले परमाणें आपल्या सैनिकां सवें तो मोरभाटाक देंवलो. खरें म्हळयार ताणें दामबाबाक मारूंक तितली व्हडली तयारी करूंक नाशिल्ली. “त्या दामबाब आनी ताच्या वाडेकारांक हांव एकलोच पुरो!” तो हंकारलो. ताची सेना मोरभाटांत पांय दवरतच गायणुच्या पोसक्या वागांनी ताच्या सैनिकांक घांस मारून सेवलें. हें पळोवन तापडतोप आदित्यरायान उरिल्ले सैनेक उदका मार्गान मोरभाटाक प्रवेश करूंक उलो दिलो. तो मात खंय गी मायाक जाल्लो. दरवडून ताची सैना तारवां आपोवन अरबी दऱ्यांत देंवली. थंयसर रावून आसच्या फिंरगी सोजेरांनी तांकां देखतच तांचेर गुळयांचो शिंवर ओतलो. ह्या वेळीं आदित्यराय गुप्तीं पळून आपली मुस्तायकी बदलून, मोरभाटांत रिगलो. मोरभाटाच्या दारवट्या भोंवतीं पारो दितले ताका वळखले नात. तो शीदा दामबाबाच्या घरा रिगलो. ताणें येवजिल्लें, “ह्या झुजांत हांव सलवल्यारूय व्हड ना, पूण म्हजें फारिकपण त्या दामबाबा कडल्यान घेतले शिवाय हांव म्हज्या रावळेरांत पांय दवरचों ना.” पूण ताचें हें कल्पन सुफळ जाले ना. दामबाब थंयसर नाशिल्लो. ताचे बदलाक ताणें दामबाबाचे धुवेक देखलें. काणशाक आदित्यरायाची ही पयलीच भेट. काणशाची सुरुपाय पळोवन आदित्यराय विज्मीत जालो. ताच्या मनांत थोडे वांकडे विचार उपजले. काणशान आपली बूद वापरली. आपल्या मुखा वयल्या गोड हांस्या द्वारीं ताणें आदित्यरायाक भुलयलें. “कोंकण नाडाच्या वरत्या रायाक म्हजें नमान”, तें म्हणालें.

आदित्यरायाक घरांत आनी घरा भोंवतणीं कोणूय नात म्हण समजूंक वेळ जालो ना. मदल्या वाड्यांत आसचीं हेर घरां इल्लीं पयसच आशिल्लीं. घरांत गर्भेस्त काणशा एकलेंच आशिल्लें. एकाच्छाणें नळे उगते जावन दोन खबरी आदित्यराया मुखार हाजीर जाले. तातूल्या पैकीं एकल्यान आदित्यरायाक रान वाटेन गेल्ल्या सैनिकांची आनी तशेंच उदका वाटेन गेल्ल्या सैनिकांची परिगत कळयली. आदित्यराय मातसो हताश जालो. पूण मागीर... “उरिल्ल्या सैनिकांक हांगासर आपय. म्हज्या रावळेरा थावन दोन मैलां पयस, पोरणें कोटें आनी राजबागाच्या मदगत एक मैलाफातर आसा... उदेंत, उत्तर आनी दक्षीण कोंकणाच्या चक्रवर्तीक थंयसर आपल्या सैनिकांक आपोवन हाडूंक सांग... मैलाफातर घुंवडायिल्ले

फरा पोरण्या कोट्र्याचें दार उगडटलें. कोट्र्या भितर, भुंयारांतल्यान राजवाड्या थावन मोरभाटांत आसच्या वयल्या वाड्याक येवची एक गुपीत वाट आसा. तूं तांकां हे वाटेन पयण करून, सरोवर उतरून, म्हाका हांगा मेळूंक सांग".

"आन्येक चत्राय", ताणें चडयलें, "सगट सैनीक भुंयारांत भितर सरले उपरांत भितर आसचो मैलाफातोर घुंवडावंक विसरनाकाय. पोरणें कोटें आपापीं भायल्यान बंद जाता आनी कोणाकूय ह्या गुप्त मार्गाची माहेत मेळची ना." ताणें दुसऱ्या खबरीक भायर रावून घर राखूंक सांगलें. पयलो खबरी वाऱ्या वेगान उडून गेलो. रायाचे आज्ञेक पाळो दिवन तो वेस बदलिल्लो खबरी राजवाड्याक पावलो. दामबाब, मानुवेल आनी गायणू मेळून आदित्यरायाक सोदी. पूण तांकां तो सांपडलो ना. आदित्यराय एदोळूच मदल्या वाड्यांत पावला म्हळळेंय तांकां अंदाज नासलो.

दिसाच्या दुसऱ्या पारार शंबर शंबरांच्या धा वांट्यांनी उदेंत, उत्तर आनी दक्षीण कोंकणाच्या, तीन पंगडांनी आदित्यरायाचीं लश्करां गुपीत रस्त्यान मोरभाटाक येवच्या इराद्यान पोरण्या कोट्र्या बगलेन आयलीं. तशें म्हळ्यार फकत अस्तम कोंकणाची सेना सलवोणी पाविल्ली! शंबर शंबरांच्या धा वांट्यांनी, तीन पंगडां म्हळ्यार तीन हजार सैनिकांचो घेराव मोरभाटाक आतां पडटा म्हळळें काणशा समजलें. एक दुर्बळ अस्तुरी आनी तीन हजारां वयर सैनिकांचो मुखामुखीं झूज कसो जावचो?

काणशान धैर सोडलें ना. आपल्या हांसत्या तोंडान रायाची सरबराय करच्या वर्तनान ताणें आदित्यरायाक सांगलें, "मानेस्तांनो तुमकां मोरभाटाक काळजान थावन स्वागत मागतां. तुमी आमच्या घरा येवचें हांव म्हजें भागूच म्हण लेखतां. दया करून तुमी म्हज्या खटल्यार आड पडा. हांव तुमच्या मनोरंजनाक एक मोरांचो नाच प्रस्तूत करूंक आशेतां."

"मोरांचो नाच!" अजापलो आदित्यराय, अर्दो तिच्या रुपाक आनी अर्दो तिणें प्रस्तूत करच्या मोरांच्या नाचाक आशेवन. ताणें 'जायत' म्हळें आनी दोन उशीं आपल्या हाता पंदा चेपून पांय सोडोवन आतुरायेन खटल्यार लोळ्ळो. काणशान थोडीं फळां आनी गायचें हुनहुनी दूद ताचे मुखार दवरून सरोवरा सरशीं धांवलें. तें भायर वेचे पयलें ताणें पारो दितल्या खबरीक, एकसुरो आशिल्ल्या रायाच्या उपचाराक गरज पडच्यो वस्तू हातार घालून गेल्लें. मोरभाटा थावन सरोवराक वेची मोटवी वाट तें जाणा आसलें.

तेणें राजवड्यांत तीन हजार सैनिकांचो जमो पोरण्या कोट्र्यांतल्यान भितर सरून, भुंयारांतल्या गुपीत मार्गान वाट चमकतालो . पोरण्या कोट्र्याचें दार धांपूंक खबरी विसरलो ना. वयल्या वाड्याच्या सरोवराक एक बांद आशिल्लो. बांद उगतो आनी बंद करूंक काणशा ल्हान थावनूच आपल्या बापाय थावन शिकिल्लें. बांदा कुशीन एक फोंड थंयसरूच मडलांनी लिपून आशिल्लो.

"ह्याच फोंडा वरवीं राजवाड्या थावन मोरभाटाक वेची वाट" काणशाक गमलें. ताणें मोडलां काडून कुशीक उडयलीं आनी मागीर बळ घालून सरोवराचो बांद उगतो केलो. तक्षणच सरोवरांतलें उदक भायर आयलें आनी त्या फोंडांत रिगलें. भुंयारांतल्यान वाट चमकतल्या सैनिकांचे पांय उदकान भिजले तरी, तांणी हे विशीं कांयच गुमान दिलें ना. राजवाड्या थावन वयल्या वाड्याचे मदगत ते आतां पाविल्ले.

उदकाचो व्हाळ वाडलो. रोखडेंच उदक तांच्या गांटी मेरेन पावलें आनी थोड्याच खिणांत पेंकटाक! फाटीं वेचें की मुखार वेचें म्हण ते घुसपल्ले. अशें आसतना उदकाचो पांवडो आनिकूय चडलो. उदक तांच्या हड्ड्या म्हणसर पावलें. तीन हजारांच्या त्या जम्यांत, पयण करचे बारीक वाटेर आनी हातांत

उज्यादिवे घेवन आसच्या सैनिकांक उपयेवंक सयत जालें ना. ह्या आकांतांतल्यान कसलेंच निवारण तांकां सुचलें ना. आपल्याच चिंत्नांनी मग्न, उपाय सोदचे सैनीक, उदकाच्या निमाण्या व्हाळाक शिकार जावन, बुडून मेले. उदक आतां भुंयारांतल्यान पोरणें कोटें पऱ्यांत भरिल्लें. सरोवराचें उदक उणें जातना आदित्यरायान देखलें. तो भायर येवचे येवजणेंत आसतनाच, पाख्या वयल्यान काणशा एके कोयतेन ताचें मस्तक कुडी थावन अलग करून, भायर आसच्या खबरी सरशीं गेलें. दुदाच्या एका पेल्यांत वीख भरसून ताणें त्या खबरीक दुदाचो पेलो दिलो. पुरासणेन पारो दिवपी तो खबरी फाटीं फुडें चिंतिनासतना तें दूद पियेलो. तातूंत आशिल्लें वीख ताचेर प्रभाव घालूंक लागलें आनी ताणें थंयच प्राण सोडलो.

थोड्या वेळान सरोवर उदकाच्या व्हाळांत बदल जाल्लो पळोवन गायणू आनी दामबाब, मानुवेला सांगाता मोरभाटाक आयले. तांणी बांद आनी व्हावून वेचें उदक पळयलें. गायणून वयर चडून बांद बंद केलो. मागीर तुर्तान तांणी गर्भेस्त काणशाक पळोवंक मदल्या वाड्याची वाट धरली. घरा पावतना दारा लागीं पडिल्लो खबरी तांणी देखलो. तांचीं तोंडां आकांतान भरलीं. भितर सरतना आदित्यरायाचें मोडें आनी काणशाच्या दोळयांनी गळचीं दुकां तांणी चोयतना, घडिल्ली हकीकत ते समजले. काणशा आनी गायणुच्या मोगाची खुणा जावन आसचें भुरगें काणशा उडी मारतनाच मेल्लें.

कोंकणाक आतां राय नाशिल्लो. रायाळ गादी आतां रिती जाल्ली. सेनापती मानुवेलान संद्राप पळोवन आपणास्तकीं आदित्यरायाच्या जाग्यार गायणूक नवो राय म्हण पाचारलो आनी तशेंच काणशाक कोंकणाची राणी. तांणी आतां 'गायणेश्वरराय' आनी काणशान 'कनिश्काराणी' म्हण नांव घेतलें. दामबाब मात आपल्या मांय गांवांतूच रावलो. गायणेश्वररायाच्या रायपणा खाल कोंकणांत जायती अभिवृद्दी जाली. कनिश्कराणयेचो ताका भरपूर पाठिंबो मेळ्ळो. शेजारचे बडगा वाटेन आशिल्ले मराठण राजा आनी तेनका वाटेन आशिल्ल्या कन्नड रायांनी तांकां आपलो सहकार दिलो आनी कोंकणी पर्जा समाधानान जियेली. दीस गेले, वर्सां उतरलीं.

मानुवेलान गायणेश्वर रायाक आपलो एक कारखानो मोरभाटांत स्थापन करच्याक विनयिल्लें. गायणेश्वररायान निश्खंत जावन ताका परवानगी दिल्ली. पूण मानुवेलान मोरांचो चोऱ्यां वेपार सुरू केलो आनी जायतो दुडू कमयलो. मोरभाटांत आतांय धनीपण चलयतल्या दामबाबाक हें मानवलें ना. ताणें मानुवेलाक अशें करच्याक आडवारलें. आपल्या फिंरगी सोजेरां सांगाता, गांवच्या थोड्या लोकांक चाळवोवन ताणें दामबाबाक घुटान जिवेशीं मारून उडोवन एक फट खबर विस्तारायली. गांवच्या आदित्यरायाच्या थोड्या विस्वाशी गांवकारांनी दामबाबाचो जीव काडून ते नपंयच जाले. मानुवेलाचो दुसरो कांटो गायणेश्वरराय जावन आसलो.

आपल्या बापायच्या मरणाची खबर आयकून कनिश्काराणयेन आपल्या पतीक मोरभाटाक एक भेट दिवंक मागलें. आपल्या बाळंटेराच्या निमाण्या वगतार आसचे कनिश्काराणयेक आपल्या पती बाराबर वचूंक जालें ना. गेल्ले पावटीं जाल्ले परीं तिका आतां आपल्या बाळशाचो जीव रिस्केर घालूंक नाका आसलो. मोरभाटाक पावतच मानुवेलाच्या फिंरगी सोजेरांनी, गायणेश्वररायाक आनी ताचे संगीं आयिल्ल्या दोन रायाळ सैनिकांक विखाळ बाणान मारून उडयले आनी वागांच्या रानांत तांची मेल्ली कूड व्हरून सोडली.

त्याच वेळार राजवाड्यांत कनिश्काराणी प्रसूत जावन तिणें एका राजकुंवराक जल्म दिलो. दोन दीस जाल्यारूय आपल्या पतीचो कांयच पत्तो नाशिल्ल्यान कनिश्कारानी मातशी भिजुडली. तरी तिणें आपल्या रायाळ चक्रवर्तीक आनी हुद्देदारांक सांगून राजवाड्याच्या संरक्षणाची पुराय बंदोबस्त केलो. तिका मेळिल्ले माहिती परमाणें तिणें सेनापती मानुवेलाची आलोचन पारखीली. आपलो वेस बदलून ती आपल्या गांवाक आयली आनी थंय आसच्या गांवकारांक सांगून एक बसका आपयली. गांवची धूव जाल्ल्यान, गांवकारांनी तिका सहकार दिलो. गांवकारांनी तिका दामबाब आनी गायणेश्वररायाच्या मरणा विशीं घडिल्ली नीज संगत कळीत केली. कनिश्कारानी दुखेस्त जाली जाल्यारूय तिणें कोंकण देशाच्या बरेपणा खातीर आनी मोरभाटाची सैंबीक सोबिताय राखाच्या आपल्या कर्तव्याक फाट वळ्ळी ना. गांवच्या एका बुदवंत तरणाट्याक एक चीट बरोवन तिणें ताका राजवाड्याक धाडलो. कोंकणी सेना घडये भितर मोरभाटांत आसच्या फिंरगी कारखान्या भोंवारीं पावली. मानुवेल आपल्या हेर फिंरगी भागिदारां सांगाता कोंकण देशाचेर घुरी घालचे येवजणेंत मग्न आशिल्लो. कोंकणी सैनिकांनी कारखान्याक एदोळूच रेवाडो घाल्लो. आपली तरसाद घेवन, दोन सैनीक मुखार आनी दोन सैनीक फाटीं दवरून, कनिश्कारानी शीदा मानुवेलाच्या खासगी कुडांत रिगली आनी आपल्या हातांत आशिल्ल्या तरसादीन मानुवेलाचें पोट तोपलें. मानुवेल थंयचे थंय रगताअच्या व्हाळांत बुडून मेलो. उरिल्ल्या फिंरग्यांक तिणें गुलाम करून राजवाड्याक व्हेलें. हे परीं कनिश्काराणयेन कोंकणाचेर फिंरगी प्रभाव रावयलो आनी मागीर येवच्या थळाव्या कोंकणी रायांनी कोंकण भुंयचेर राज केलो. तिची व्हडवीक संवसारभर गाजली आनी त्या काळाच्या व्हड व्हडल्या राजघराण्यांनी तिचो उल्लेख - एक उत्तीम कारबारीण आनी नितिवंत अधिकारीण म्हण जातालो. चरित्रकारांनी तिका ‘कनिश्कारानी वरती’ म्हळ्ळें बिरूद दिलां.

असली मानेस्तीण सरून वर्सां उतरलीं. हें इतिहासीक मोरभाट आतां कशें आसा गाय, म्हणच्या अत्रेगान हांव थंय गेलों. हरेक कडे बांदपां आनी विक्री-केंद्रां (शॉपिंग मॉलां) उबीं आशिल्लीं आनी खोमीस काल्सांव, घागरो पोलको घाल्लो लोक गाडयेर आनी मोटारार हेणें तेणें पाशार जातालो. मोर मात म्हाका दिसले नात. तेन्नाच वारें मारलें आनी वाऱ्या मदें मोराचें एक पांख म्हज्या तोंडाक आपटलें - एक साक्स कशी, मोरभाटांत जियेल्ल्ये हे वरते राणयेची. सिंतिमेंतान म्हज्या हाताची ल्हंव उबी जाली!

# असलें एक काजार

“कितें बा, असलें काजार! म्हजे जिणयेंत पयले पावटीं हांवें देखचें” सुस्कार सोडून, मातशी घुसपल्ली पेच्चाबाय सेवरीनबाये लागीं म्हणाली. हांव म्हज्या मोबायला भितर रिगिल्लीं. तांचें उलोवणें आयकलें, पूण तांच्या उलोवण्याचो संदर्भ कितें म्हळ्ळो म्हाका कळ्ळो ना. व्हंकलेचो बापूय आनी सेवरीनबाय पयशिलीं सोयरीं.

पेच्चाबाय आनी सेवरीनबाय म्हज्यो लागशिल्यो शेजारनी, आमच्या बिल्डिंगांत आसचे प्रगामी ताळे. संवसारांतलो खंयचोय विशय जांव, ताचेर आपणाचो अभिपराय दिल्ले शिवाय तांकां न्हीद पडनासली. म्हज्या काजाराचीय तांकां भारीच खंत.

“अळे गो प्रीता तुका परगांवांत काम करचो गिरेस्त न्हवरो हांवूच सोदून हाडटां, तूं कांय खंत करिनाका” पेच्चाबायेचीं म्हाका सदांच खात्रेचीं उतरां. म्हाका मात हे विशीं फिकीर नासली. गिरेस्त जांव वा दुबळो जांव, देवभिरांतीचो, कोंकणी क्रिस्तांव चलो मेळ्ळयार पुरो म्हाका.

जनेलार उबीं रावून हांव तांकां चोयतालीं, बोटां मात मोबायलार. तांचें उलोवणें म्हाका स्पश्ट आयकतालें.

“मंगळूरांत दोन आंगडी, घाटार काफी एस्टेट आसुनूय लोबांगेल्ल्यांक काजार म्हळ्ळयार कितें म्हण कळीत ना वे?” सेवरीनबायेन अजाप जावन आपले इश्टिणेक जाप अपेक्षिनाशें सवाल घालें. विशय कितें म्हळ्ळो हांव आजुनूय समजूंक प्रयत्न करतालीं. पूण म्हाका कांयच सुचलें ना.

“काजार म्हळ्यार इगर्जेंत मात खंय.....कोणें सांगलां? खंय बरयलां?” सेवरीनबायेचीं आनी दोन सवालां. पेच्चाबाय आपल्या कापडाची देग सारकी करीत तकलेक हात मारून म्हणाली, “आजकालच्या भुरग्यांक सांगचें कोणें?” आनी मुखारून ती म्हणाली... “आमचें प्रीता कितल्याकूय जावं येत अबा....” भोवशा तांचें उलोवणें हांव आयकतां म्हण तीं जाणा जाल्लीं.

“हाय यंग लेडीस.....” मस्करी करून हांवें त्या पन्नास वर्सांच्या बायलांक उलो केलो. तांणीं चर्चा करचो विशय कसलो म्हण जाणा जावंक हांव अत्रेगतालीं. फाल्यां परिक्षा आशिल्ल्यान म्हाका रॉनी आनी लविटाच्या ह्या काजाराक वचूंक जालें नां.

“गडद गी काजार?” हांसत्या तोंडान हांवें तांकां मेटां देंवतना विचारलें. पांच माळयांच्या आमच्या बिल्डिंगांत आमचें घर पयले माळयेर आनी तांचीं घरा सकयल ग्रांवड फ्लोरार.

“कितें सांगचें प्रीता....तूं मात तशें बिलकूल करिनाका....दुडवाचो आदार जाय जाल्यार आमी दितांव” सेवरीनबाय हंकारान उलयली. तिचे दोग पूत काजार जावन गल्फांत बऱ्या कामार आसले. विल्फी दाट्टूक गेल्ल्या म्हयन्यांत बाबू जल्मल्लो. सेवरीनबाय ताका पाळण्यांत घालूंक दुबय पळोवन आयिल्ली. देवाचे कुर्पेन आनी वल्ली अंकलाचे म्हेनतीन तांची आर्थीक स्थिती बरी आसली. आनी आतां भुरगीं परगांवांत काम करून आसल्यान ती आनिकूय सुदरल्ली. आड खाणां खावंक, हफ्त्याक दोन पावटीं सयत शॉपींग मॉलांनी भेट दिवन वस्तू हाडचे तितली तांक तिचे थंय आसली.

“मीस मात....मिलार इगर्जेंत आनी मागीर तांचें भाशण” पेच्चाबाय फुमारली. म्हाका कितें म्हण समजलें ना. “रेस्पेराच्या मिसा उपरांत हॉलाक वेतात ने?” हांवें मातशे विवरसून परातलें.

“व्हय बा... मात तशें थंय घडलें ना....आमकां आयकूंक मेळ्ळें फकत तांचें एक भाशण” आमशेल्लें तोंड घेवन सेवरीनबाय मदेंच उलयली.

“.....भाशण....म्हळ्यार?” हांव आतूरलीं.

“फाल्यां पेपरार येत...” आतां पेच्चाबाय उलयली. आनी मागीर सरासर उलोवन, “दायजी दुबयवाले आनी टायम्साचे थंय विडियो आनी कॅमेरा घेवन सुत्तू मारताले....भारतांतूच कित्याक आतां ह्या काजारा विशीं आख्ख्या संवसाराक कळीत जातलें”.

तांचीं उतरां आयकतना हांव गंभिरपणी चिंतूंक पडलीं.....देवा म्हज्या! रॉनी आनी लविटाच्या काजारांत कितें घडलें गाय?

***

हांव ऍग्नेसांत शिकतना रॉनी आलोशियसांत डिग्रीचें शिकप शिकतालो. लविटा म्हजे परस दोन वर्सां सीनियर, ऍग्नेसांत नर्सिंग शिकतालें. लविटाचो मायेस्त सभाव म्हाका खूब मेचवतालो. बापूय आस्तीक मनीस आसुनूय धुवेक ताणें आवय नासल्याचें उणेपण भोगूंक केन्नाच दिवंक ना. रॉनीचो सभाव क्रांतीकारी. सता खातीर, न्याय निती खातीर झुजपी तसल्या व्यक्तित्वाचो.

एका इंटर कॉलेज स्पध्या वेळार लविटा आनी म्हजी भेट रोनीशीं जाली. पयलेच नदरेन रॉनी लविटाक आनी लविटा रॉनीक मेचवलीं. लविटान सदांय म्हाका रॉनीच्यो खबरो सांगच्यो आसल्यो. तांच्यो खबरो आयकून म्हाकाय संतोस भोगतालो. एके आवय नाशिल्ल्या भुरग्याक रॉनी तसलो गुणेस्त चलो देवाचेंच निर्मण म्हण हांवें लेखलें.

मागीर एक दीस...लगभग देड वर्सां फाटीं...

लविटा म्हज्या कुडाक आयलें. “प्रीता तुका एक गजाल सांगूंक आसा” मंद ताळयान मात हांसकुऱ्या तोंडान ताणें म्हळें. हांवें म्हजे वाच्चे बूक बंद करून ओक्ल काडून लविटाक पळयलें.

“रॉनीन आनी हांवें आमचें शिकप सोंपोवन काजार जावंक चिंतलां...” ताणें एकाच वाक्यान सगळें म्हाका कळयलें. तें लजेन मुदो मुदो जाल्लें.

“वाव.....हाचे परस आनी दुसरी बरी खबर खंयची लवी............... I am so happy” तिच्या संतोसांत म्हजोय संतोस हांवें उदगारलो.

“केन्ना आनी खंय हे विशीं आमी गंभिरपणीं नियाळून आसांव प्रीता.....फिक्स जातच तुका कळयतां” ताणें म्हाका खात्री दिली.

सुमार देड वर्सां लविटान आपल्या काजारा विशीं कांय उल्लेख केलो ना. म्हज्या शिकपांत मग्न आशिल्ल्यान हांवेंय ताका कांय विचारलें ना. लविटाचें शिकप सोंपोवन मंगळूरांतूच ताणें आपलें क्लिनीक उगडलें. रॉनी विशीं ताणें म्हाका चड कांय सांगलें ना. रॉनीन धाडच्या वॉट्साप मॅसेजांक, हांवें फकत हाय बाय म्हणचें आसलें. पूण तीं एकामेकाच्या मोगांत आजुनूय आसात म्हण हांव जाणा आसलीं.

अवचीत त्या दिसा.....काजाराच्या एका हफ्त्या आदीं, वॉट्साप्पार म्हाका रॉनीन आपल्या काजाराचें आपोवणें धाडलें. त्याच दिसा लविटानूय म्हाका फोन केलो.

“आमी येवच्या आयतारा मिलार इगर्जेंत काजार जावंक थारायलां प्रीता, तुजे परिक्षे विशीं हांव जाणां...आयतारा सांजेर रेस्पेर आनी सोमारा सकाळीं तुजी परिक्षा...तुजे परिक्षे बाबतीं चड गमन दी....” इतलेंच सांगून लविटान कॉल कातरलें. म्हाका मातशे अजाप जालें.

म्हजी इश्टीण जावन लवी अशें कित्याक उलयता? म्हज्या मतींत हें सवाल उठलें.

मागीर दीसभर हांव म्हज्या इतल्याकूच चिंतूंक पडलीं. लवी म्हजें खास फ्रँड...पूण रोसा विशीं, काजाराचे तयाराये विशीं, एम.सी, डी.जे. विशीं एक शब्द उलयलें ना! सगळें गुपीत गुपीत, गयरें गयरें म्हाका दिस्तालें. कसल्ये रितीचें काजार गाय हें?

***

पेच्चाबाय आनी सेवरीनबायेक पळयतना रॉनी आनी लविटाच्या काजारा विशीं हांव जाणा जावंक आशेतालीं. मोबायलार रॉनी आनी लविटा कडे उलोवंक प्रेतन करतालीं. फोन वाजतालें तरी तीं कॉल स्विकार करिनासलीं.

पेच्चाबायक हांवें विचातना तिणें म्हळें, “मिसाक सादीं वस्तरां रॉनी आनी लविटा न्हेसून आयिल्लीं...प्रीता. सूट आनी गावन तांचे कडे नासलें. धेडो, धेडी, फ्लावर बॉयस आनी गर्ल्स, काजाराचें हॉल, बँड, बुफे, केक आनी वायन.....असलें सक्कड कांयच थंय नासलें. आदल्या दिसा रोसाक, रोस पुसूंक मात, तेंय फकत धा बारा जणां घरच्यांनी.....आनी कितें सांगचें प्रीता?”

मागीर सेवरीनबाय सांगूंक लागली “रेस्पेराचें मीस सोंपतच रॉनी आनी लविटा उलयलीं.... आयलेवार आमच्या क्रिस्ती कार्यांनी दुडवाचो जावचो इबाड पळोवन आमी थारायलें सर्वांक एक बरी देख दिवंक. काजाराच्या साक्रामेंताचेर चड गुमान दिवन, उरिल्ले पयशे गरीब निराश्रितांत जेवण वाडूंक...... थोड्यांक हें आयकतच रागूय आयलो.”

“पूण हें कसलें काजार? .....अशें कोणें काजार जावं येत? ...हाका काजार म्हणतात गी?” पेच्चाबायचीं फटाफट तीन सवालां, सेवरीनबाय म्हका घडिल्ली हकीकत सांगतना.

मंगळूरच्या त्या शारांत रॉनीन आनी लविटान अशें काजार जातना म्हाका निजाकूय तांचेर अभिमान भोगतालो. ताणीं फाटीं मुखार करचें कारण म्हाका आतां कळळें. चड आडंबर आनी दुडवाचो नास एका दिसा खातीर कित्याक? काजाराचो समारंभ काजारी जिणयेच्या हरेका दिसा न्हय गी? आवय बापायनी जिवीतभर जोडचें आनी सगळें एकाच दिसा मोडचें, हांतूं कसलो तर्क?

“व्हय आंटी....हाकाय काजार म्हणटात....ही एक क्रांती....आमच्या क्रिस्तांवां मदें वेगींच सुरू जावंक जाय.....अशेंय काजार करूं येत”, तोंड सोडून हांवेंय म्हळें.

# आशावादी प्रकाशनाचीं पुस्तकां (प्रिंट)

२००२

**आशावादी** (कथाजमो, वल्ली क्वाड्रस)

२००३

**च्यार मुखां** (कविता जमो, वल्ली क्वाड्रस)

**जिविता सोभाण** (तर्जण कविता, जोर्जी पींत आयकोळ)

२००४

**खिळो** (कथाजमो, वल्ली क्वाड्रस)

**कटपुतळी** (कविता जमो, वल्ली क्वाड्रस)

**कयद्याच्यो कविता** (कविता जमो, एच्चेम)

**व्हळू व्हळू व्हाळ व्हाळ्या** (कविता जमो, आंडऱ्यू एल. डिकुन्हा)

२००५

**विंचणार चिंतप आनी भगणां** (लेखनां, जेम्मा पडील)

**सतां आनी खतां** (नैतीक कथा, वल्ली क्वाड्रस)

**सर्गावयली मांय** (कथाजमो, रोनालड ओलिवेरा पडुकोणे)

**कंगाल आनी ताची कुक्केहळ्ळी** (कथाजमो, वल्ली क्वाड्रस)

**मोतियां आनी तारां** (कविता संकलन, वल्ली क्वाड्रस)

**कवितापाठ** (कविता विशलेषणां, वल्ली क्वाड्रस)

२००६

**पाटीं गांवाक** (कादंबरी, वल्ली क्वाड्रस)

**बामुणांचें चेडूं** (कविता जमो, एच्चेम)

**दर्भारांतली पिंर्गोण** (कविता जमो, वल्ली क्वाड्रस)

**दऱ्याक उदक** (कविता विशलेषणां, वल्ली क्वाड्रस)

**सागोराच्या वाटेच्यो झरी** (कविता संकलन, वल्ली क्वाड्रस)

२००७

**आडोसांतलीं फुलां** (कविता जमो, डो.आसटीन डिसोज प्रभू)

**आटव्या रंगाचो धोणू** (कविता जमो, मेलवीन जे. वास, केलराय)

**शिंपडलेलीं मोतियां** (कविता संकलन, वल्ली क्वाड्रस)

**मुखां पाटलीं रुपां** (कविता जमो, अनील पेर्नाल)

**मोळबावयलीं स्वपणां** (संपादकीयां, वल्ली क्वाड्रस)

**कुल्कुलो** (कविता जमो, सिज्येस ताकोडे)

**तिंतेरांत पिंतुरां** (कविता संकलन, वल्ली क्वाड्रस)

**काळोक नातल्लो गांव** (कविता विशलेषणां, वल्ली क्वाड्रस)

२००८

**म्होंव आनी मूस** (कविता जमो, मा. मेलवीन पिंटो, नीरुडे)

२०१७

**बंध** (कथाजमो, वल्ली क्वाड्रस)

**अपवित्र संबंध** (कथाजमो, वाल्टर लस्रादो)

**सर्गावयली मांय** (कथाजमो, रोनालड ओलिवेरा पडुकोणे)

**बजार** (कन्नड कविता जमो, वल्ली क्वाड्रस)

**मुगदनातलीं गितां** (कविता विशलेषणां, वल्ली क्वाड्रस)

**मोनी बोब** (कविता जमो, जोन सुंटिकोप्प)

**मुखामुखी** (संपादकीयां, वल्ली क्वाड्रस)

२०१८

**बजार** (नागरी कविता जमो, वल्ली क्वाड्रस)

**पाटीं पर्तल्लीं ल्हारां** (तर्जण कथा: वाल्टर लस्रादो)

**तान** (कविता जमो, प्रसन्न निड्डोडी)

**बायील बम्मणू** (कविता जमो, वसुधा प्रभू)

**सुक्ती भर्ती** (कविता विशलेषणां, वल्ली क्वाड्रस)

**पडबिंब** (कविता जमो, रीटा आलबुकर्क)

**काळजा उडी** (कविता जमो, रोशुबाबा, बार्कूर)

**चाबूक आनी हेर कथा** (कथाजमो, रोनालड मोंतेरो, कटपाडी)

**पर्नो रूक आनी तर्नी वाल** (कथाजमो, एवरी पांगळा)

**शिमटी आनी हेर कथा** (कथाजमो, स्टेनरो, अजेकार)

२०१९

**कंगालन कुक्केहळ्ळीय कतेगळू** (कथाजमो, वल्ली क्वाड्रस)

**एक नवो संसार** (कथाजमो, मा.चेतन कापुजीन)

२०२०

**नवी दिशा** (कथाजमो, मोनिका डे’सा मथायस, डबलीन)

**फांत्यापाराचें सपण** (कथाजमो, वाल्टर नंदळिके)

**कोंबो आनी झूज** (कथाजमो, स्टीफन पिंटो, कुंटल्पाडी)

२०२१

**पडसाद** (कन्नड, संपादकीयां, वल्ली क्वाड्रस)

२०२२

**पडसाद** (नागरी, संपादकीयां, वल्ली क्वाड्रस)

२०२३

**आटवो सूर** (कविता जमो, सलोमी मियापदव, मोगर्नाड)

**पानांच फुलां जाताना** (कविता जमो, मोनिका डे'सा मथायस, डबलीन)

**दानियेल आनी एसतेर राणी** (नाटक, मा. रोनालड सेरावो)

२०२४

**मृगजळ** (कथाजमो, डो. एडवर्ड एल. नज्रेत)

**मायानगरी** (कथाजमो, वल्ली क्वाड्रस)

**निर्वासीत यात्रिची भंवडी** (कविता जमो, शैलेंद्र मेहता)

# आशावादी प्रकाशनाचीं डिजिटल ई-पुस्तकां

२००५

**सागोराच्या वाटेच्यो झरी** (कानडी, कवितासंकलन, पयलें ई–पुस्तक)

२०२१

**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (कानडी, कथासंकलन)

**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (नागरी, कथासंकलन)

**विलफी रेबिंबसाच्यो कथा** (रोमी, कथासंकलन)

**नवी दिशा** (नागरी, कथाजमो, मोनिका डे'सा मथायस)

**छाबूक आनी हेर कथा** (कानडी, कथाजमो, रोनालड मोंतेरो, कटपाडी)

**फांत्यापाराचें सपण** (कानडी, कथाजमो, वाल्टर नंदळिके)

**सिसिफस तेंगशेर** (कानडी, कविताजमो,)

**इंद्रधोणू उदेंव** (कानडी, कविताजमो,)

**आत्मनाद** (नागरी, कविताजमो, उर्जिता भोबे)

२०२२

**चल दोन चंद्रांक** (कानडी, कथा अध्ययन)

**चल दोन चंद्रांक** (नागरी, कथा अध्ययन)

**कथाविहान** (कानडी, कथा अध्ययन)

**कथाविहान** (नागरी, कथा अध्ययन)

**कथाविहान** (रोमी, कथा अध्ययन)

**मनस्फोट** (नागरी, कविताजमो, सियालिनी फेर्नांडीस)

**मनाचें नातें** (नागरी, कविताजमो, फिलोमेना सांफ्रान्सिसको)

**पडसाद** (नागरी, संपादकीय, वल्ली क्वाड्रस)

**तांब सूऱ्या हांव** (नागरी, कविताजमो, प्रकाश द. नायक)

**सत्यकाम** (नागरी, कविताजमो, आर. एस. भासकर, कोचीन)

**माय** (नागरी, कविताजमो, सरस्वती द. नायक)

२०२२

**लोकडावन** (कानडी, नागरी, रोमी कवितासंकलन)

**पयणारी डिजिटल जर्नल** (कानडी)

**पयणारी डिजिटल जर्नल** (नागरी)

**पयणारी डिजिटल जर्नल** (रोमी)

**सूऱ्यो उदेला** (कानडी, कथासंकलन, वल्ली क्वाड्रस)

**क्याथरीन रोड्रिगसाच्यो कथा** (कानडी, कथाजमो, क्याथरीन रोड्रिगस, कटपाडी)

**सांकव** (कानडी, कथासंकलन, वल्ली क्वाड्रस)

**सांकव** (रोमी, कथासंकलन, वल्ली क्वाड्रस)

**आपलो पर्कों** (कानडी, कविताजमो, प्रसन्न निड्डोडी)

**आपलो पर्कों** (नागरी, कविताजमो, प्रसन्न निड्डोडी)

२०२३

**कवी आनी कविता** (नागरी, कविताजमो, शरतचंद्र शेणय, कोचीन)

**मौन शब्ध** (नागरी, कविताजमो, बालकृषणा मल्य, कोचीन)

**आत्मनाद** (नागरी, कविताजमो, वैषणवी. पी. रायकर)

**साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा** (कानडी, कथाजमो)

**साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा** (नागरी, कथाजमो)

**साळकाच्या सिरिवंताच्यो कथा** (रोमी, कथाजमो)

**पयणारी डिजिटल जर्नल** (कानडी)

**पयणारी डिजिटल जर्नल** (नागरी)

२०२४

**मृगजळ** (कानडी, कथाजमो, डो.एडवर्ड एल. नज्रेत)

**मृगजळ** (नागरी, कथाजमो, डो.एडवर्ड एल. नज्रेत)

**तिची काणी** (कानडी, कथाजमो, डो.जयंती नायक)

**पयली भेट** (नागरी, मा. रोयसन फेर्नांडीस)

**आमगेल्यो कोंकणी काणियो** (कानडी, मा.जेसन पिंटो)

**आमगेल्यो कोंकणी काणियो** (नागरी, मा.जेसन पिंटो)

**सपणांतल्या गांवचाची वाट** (कानडी, कविताजमो, उदय म्हांबरो)

# आशावादी प्रकाशनाचीं डिजिटल आ (आडियो) पुस्तकां

२०१८

**कथादायज** (वल्ली क्वाड्रसाच्यो ३० कोंकणी कथा)

२०१९

**सूऱ्यो उदेता** (राश्ट्रीय मट्टाच्यो २७ कोंकणी कथा)

२०२०

**मायानगरी** (वल्ली क्वाड्रसाच्यो मुंबयच्यो ३० कथा)
**लोकडावन** (कोंकणी कविता संकलन)

२०२१

**सूऱ्यो उदेला** (राश्ट्रीय मट्टाच्यो २७ कोंकणी कथा)
**कथामृत** (क्लेरेन्स कैकंबच्यो २० कोंकणी कथा)

२०२२

**कथाझर** (कोंकणी कथा संकलन ६० कोंकणी कथा)

२०२४

**मृगजळ** (डो. एडवर्ड एल. नज्रेताच्यो २० कोंकणी कथा)
**कथाहार** (कोंकणिच्यो पन्र्यो ३५ कोंकणी कथा)
**कथन** (कातोलीक पाद्री कथाकारांच्यो कथा)
**स्टेन अगेराच्यो कथा** (स्टेन अगेराच्यो ३० कोंकणी कथा)
**गोलिमारच्यो कथा** (डो.एडवर्ड एल. नज्रेताच्यो २० कथा)

# संपादन केल्लीं कोंकणगार प्रकाशनाचीं पुस्तकां

२०२०

- **माडाथावन तेलाखणी परयांत** (लेखनां, ए. वेरोनिका फेर्नांडीस)
- **सांकव** (नागरी, कथाजमो, वल्ली क्वाड्रस)
- **मयलाफातर** (कवितासंकलन)

२०२१


- **केनरा काथोलीक काजारांनी वोवियो** (मा.मायकल सांतुमायेर)

२०२२

- **नवी दिशा** (रोमी, कथाजमो, मोनिका डे’सा मथायस)

आशावादी प्रकाशन,

कोंकणी साहित्य प्रकाशनांत २५व्या वर्साक
मेटां काडच्या संधर्भार सर्व बरें माग्तां



# डो. आस्टिन डिसोज प्रभु

## आनीं कुटाम



# मा. जेसन पिंटो

**जॅसन पींत उदयावर** लिखणे नांवार कथा, लेखन, विशलेषण बरंवचो हो एक कथाकार. कोंकणिच्या हेर लिपियांनी आसचें साहित्य सयत वाचून आयिल्लो जशें हेर भासेंतलें साहित्य सयत हाणें वाचलां. भासांतर, लिप्यंतर वावरांत सयत काम केलां. **पयणारी** डिजिटल साहितीक जर्नलाचें (रोमी लिपी) सह-संपादकपण चलयलां. 'आमगेल्यो कोंकणी काणयो' हाचें पयलें पुस्तक. कोंकणी भासेचें गिन्यान आसच्या हाचेंथावन फुडारांत अनीकयी बरें साहित्याची अपेक्षा करुयेत.

## आशावादी प्रकाशन